चामड्याक चिमटो

भरत नायक

28/5/86

चामटयाक चिमटो

भरत रघुवीर नायक

अपूर्व प्रकाशन
सावय - वेरें
फोंडें - गोंय
४०३४०१

अपूर्व प्रकाशन : १

पयलें छापप : अेप्रील, १९८६

छापणावळ : सागर साहित्य मुद्रणालय, पणजी

(c) सगळे हक लेखकासुवादीन

मोल : १५ रुपया

म्हजो आजो

नामी

(श्री. नामदेव विठ्ठल नायक)

हांच्या उगडासाक

नमस्कार.

"तुमचीं सगळीं नाटकुलीं आमी करून सोपयलीं. आनीक दियात." अशें जायत्या शाळा-कॉलेजच्या तशेंच नाट्यसंस्थांच्या जाळवणदारांनी म्हाका सांगलें. तशीं कांय पत्रांय म्हाका आयलीं. हांव उर्बेन भल्लों, आनी नवीं नाटकुलीं बरोवचे तयारेक लागलों. तांतल्या तांतूत "कलाघर" नाट्यसंस्थेच्या बाबुरर्प्यांनी म्हजे फाटीक लागून अेकांकी बरोवन घेतल्यो. ह्याच कलाकारांनी दिल्ल्या प्रोत्सानाच्या आदारान हें पुस्तक तुमच्या हातांत दिवंक शकलों.

दुसरें पुस्तक छापतलो जाल्यार पयल्या पुस्तकाक खर्चिल्लो दुडू हातांत आयलोना जाल्यार उमेद मोडटा. तुमी म्हणटले 'तुमचीं सगळीं नाटकुलीं करून सोपलीं' अशें म्हणपाअितले प्रयोग जातात जाल्यार पुस्तकां खपूंकूच जाय. हय ! म्हाकाय तशेंच दिसतालें. पुण म्हजे अशे कांय बरे-मागते आसात, जे पुस्तक मागून व्हरतात आनी अेकांकी कादेनार बरोवन काडून पुस्तक परतें हाडून दितात आनी प्रयोग करतात.

अेकांकींत काम करतल्या दर अेका पात्र्याकडेन अेक अेक पुस्तक आसप गरजेचें. पुण सगळ्यांनी मेळून दोन-तीन जरी पुस्तकां विकतीं घेतलीं जाल्यार फुडले छापणावळीक आदार जावं येता.

प्रयोग करचे पयली लेखकाची लिखीत मान्यताय घेवची, अशें दर अेका पुस्तकांत बरयल्लें आसतना लेगीत म्हाका कळयनासतना कितलेशेच प्रयोग जातात आनी अिनामांय घेतात.

जायतेकडेन अेकांकीचीं नावां बदलून प्रयोग जाल्यात. त्यावेळार लेखकाचें नांव बदलूंकना हेच तांचे म्हजेर उपकार जाले, अितलें समाधान मानून घेतलें.

खंयचेंय नाटक जांव अेकांकी माचयेर हाडचे पयली लेखकाक फाव तें मानधन धाडून लिखीत मान्यताय घेवची पडटा. पुण गोंयकारांक हें विचित्रशें दिसता. कारण ही चाल गोयांत अजून चालंत जावंकना. देखून सांगचें पडटा—

म्हज्या खंयच्याय पुस्तकांतल्या खंयच्याय अेकांकीचो प्रयोग करचे पयली मानधन म्हूण २५ रु. (पंचवीस रुपया फकत) धाडून दिवचे.

तुमचो,

भरत नायक

नामी-घर
(गोवा-वेल्हा)
गोवा. ४०३ १०८

मिशयो रे मिशयो

सरू

दिगू

मॅनेजर

पापा

बॉस

मि. शक्ती

पयलो

दुसरो

तिसरो

चली

चामटचाक चिमटो

भाटकार

कर्तो

मर्तो

विसरो वासू

वासू

रायू

वैनी

तुका पका झिंदाबाद

दोतोर

तुका

पका

चामट्याक चिमटो

भाटकार : अेक चामटो भाटकार. पोट मात्शें फुडें.
कर्तो : अेक मानाय. मर्त्याचो इश्ट.
मर्तो : अेक मानाय. कर्त्याचो इश्ट.

(भाटकार धोलतेराचेर बसून धोलता. कर्तो आनी मर्तो धांवत येतात आनी एकाच वेळार भाटकाराच्या पांयाचेर घालून घेतात)

कर्तो : हांव पयलो येयलां.
मर्तो : हांव पयलो पावलां.
कर्तो : हायें पयली पांय धल्ल्यात.
मर्तो : हायें पयली पांयाक हात लायला.

(दोगूय भाटकाराचे पांय आनीक घट धरतात)

भाटकार : आरे–आरे, हें चल्लां किते ? म्हाका खाल्लो मरे तुमी ! म्हजे पांय दुखयले. (दोगांयचे तकलेर अेक अेक थापट मारून) सोडात, सोडात म्हजे पांय.
कर्तो : हांव सोडचोंना.
मर्तो : हांवूय सोडचोंना.
भाटकार : आरे पुण तुमी कोण, खंयचे ? अशे अेकदम घरांत भितर सरून म्हजे पांय ओडटात म्हणचें कितें ? कोंचून काडशात मरे म्हजे पांय.
कर्तो : भाटकारा, तूंच सांग, हायें तुजो पांय पयलो धल्ला कायना ?
मर्तो : भाटकारा, खरें सांग, म्हजो हात तुज्या पांयाक पयलो लागूंक ना ?
भाटकार : पयली म्हजे पांय सोडात, मागीर सांगतां.

(दोगूय भाटकाराचे पांय सोडटात)

कर्तो : आतां सांग भाटकारा, हावें पयलो हात लावंक नासलो ?

भाटकार : हय.

मर्तो : कितें भाटकार, फटी मारता ? म्हाजो हात तुज्या पांयाक पयलो लागूंकना ?

भाटकार : हय.

कर्तो–मर्तो : अशें कशें तर ? अेक कितें तें सांग.

भाटकार : तुमी कोण, आनी हांगा कित्याखातीर आयल्यात तें कळ्ळचाबगर हांव सांगचोंना.

कर्तो : हांव सांगतां.

मर्तो : हांव सांगता.

भाटकार : रावात – रावात. तुजें नांव कितें ?

कर्तो : कर्तो.

भाटकार : तुजें ?

मर्तो : मर्तो.

भाटकार : कर्त्या, तूं सांग.

कर्तो : भाटकारा, आमी दोगूय मानाय, तुमगेर येयल्या कामाक.

मर्तो : हांव पयलो येयलां.

कर्तो : हांव पयलो पावलां.

भाटकार : शाबास ! म्हणचें तुमी दोगूय मानाय तर. बरें जालें ! तुमी कसलें काम करूंक जाणात ?

कर्तो : हांव झाडां शिपूंक जाणा.

मर्तो : हांव झाडां रोवंक जाणा.

कर्तो : हांव उदक भरूंक जाणा.

मर्तो : हांव बांय खणूंक जाणा.

कर्तो : हांव नाल सोलूंक जाणा.

मर्तो : हांव नाल फोडूंक जाणा.

कर्तो : हांव माडार चडूंक जाणा.

मर्तो : हांव दोंगरार चडूंक जाणा.

(आतां अेकामेकाक)

कर्तो : हांव फाट फोडूंक जाणा.

म. : हांव दोके मोडूंक जाणा.
क. : हांव बांदून घालूंक जांणा.
म. : हांव हुमले घालूंक जाणा.
क. : हांव फोण खणूंक जाणा.
म. : हांव फोंडांत पुरूंक जाणा.
क. : हांव फोण अुस्तूंक जाणा.
म. : हांव गोमटेर बसूंक जाणा.
भाटकार : आरे–आरे, अशे अेकमेकाचेर जळटात कित्याक ? काम करपाक आयल्यात काय गोमटेर बसपाक आयल्यात रे तुमी ? हें पळयात, कत्यी, मत्यी, घराभायलें कश्टांचें काम करपाक तुमी फाटी नात हें कळटाच. घरांतलीं कसलीं कामां जाणात तुमी ?
क. : हांव सान्न मारूंक जाणा.
म. : हांव शिमिट काडूंक जाणा.
क. : हांव घर शिवपाक जाणा.
म. : हांव घर बांधपाक जाणा.
क. : हांव जेवण रांदूंक जाणा.
म. : हांव रांदून वाडूंक जाणा.
क. : हांव चण्याचें तोंडाक करूंक जाणा.
म. : हांव बांगड्याची अुडुमेथी करूंक जाणा.
क. : हांव कोंब्याची शाकोती करूंक जाणा.
म. : हांव बोकड्याचें मटण करूंक जाणा.
क. : हांव रानधुकर मारूंक जाणा.
म. : हांव गोव्यारेड्याक मारूंक जाणा.
क. : हांव पोट चिरूंक जाणा.
म. : हांव गोमटी कातरूंक जाणा.
भाटकार : पुरो--पुरो, समजलें. तुमी दोगुय हुशार. अेकामेंकाच्यो गोमट्यो कातरूंक पसून जाणात. म्हाकाय असल्याच मानायांची गरज आसा.
क. : हांव रावतां.
म. : हांव रावतां.
भाटकार : रावात–रावात. म्हाका मानाय जाय. पुण अेके अटीर.
क. : कबूल.

म. : हांवूय कबूल.

भाटकार : अट अशी – हांव दिता तितलींय कामां आंग चोरीनासतना करूंक जाय. अेक काम जालेंना जाल्यार पगारांतले पन्नास रुपया अुणे करतलों. सांगता त्या वेळार काम सोपूंक जाय.

क. : हांव सगळी कामां सारकी करपी.

म. : हांव तेज्यापरस बरीं करपी.

भाटकार : बेकार बसूंक मेळचेना. अेक काम सोपतांच दुसऱ्या कामाक लागपाचें.

क. : हांव तयार.

म. : हांवूय तयार.

क. : भाटकारा, पगार कितलो ?

भाटकार : शंभर रुपया.

म. : अेके चुकेक पन्नास रुपया कट. दोन चुको केल्यो जाल्यार शंभर रुपया गेले.

क. : हांव चूक करचोंना.

म. : हांव अेकूय चूक करचोंना.

क. : म्हयन्याक अेक नोट शंभराची – अुबी !

म. : वर्साक बारा नोटी जाल्यो.

क. : अेक हजार रुपया जावन गेलो.

म. : देड हजार जायत येयलो.

क.--म. : भाटकारा, अेका वर्साचे कितले जाले ?

भाटकार : शंबर रुपया.

क. : वर्साक बारा म्हयने न्हय ?

म. : तीनशें पैंसट दीस न्हय ?

भाटकार : हय. तरीपुण वर्साचे शंबरूच रुपया जातात.

क.–म. : कशे ?

भाटकार : कारण तुमकां जेवन खावन शंबर रुपया पगार सांगला तो अेका म्हयन्याक न्हय. अेका वर्साक.

क.–म. : अेका वर्साक ! (तोंड घुंवडावन बसतात)

भाटकार : जेवन–खावन, न्हेसून पांगरून, राबून–सवरून वर्साक शंबर रुपया खूऽऽब जाले. नाका जाल्यार चलात.

म. : हांव रावतां.
क. : हांव रावतलों.
भाटकार : तुमचो सगळोच पगार वर्साचो कितलो जाता जाणा ?
क. : शंबर रुपया.
म. : अेक शेंकडो.
भाटकार : न्हय. चार हजार आठशें साठ रुपया.
क. : मागीर आमकां शंबरूच रुपया कित्याक दिता तर ?
म. : वयले इतले हजार रुपया खंय वयतात ?
भाटकार : तीनशें पांसश्ट दिसाचे जेवणाचे जातात ३६५० रुपया. हांगा रावपाचें घर–भाडें जाता १२०० रुपया. मेळून ४८५० रुपया. आनी शंबर रुपया कामाचे.
क. : आमी आमचें कुशीन रांदून जेवले जाल्यार ?
म. : जाल्यार सगळे हजार मेळूंक जाय.
भाटकार : तशें रांदूक मेळचेंना. कारण तुमी रांदपाक वेळ व्हगडायतले. कोंताक पडटा जाल्यार रावात.
क. : हांव तयार.
म. : हांव तयार.
भाटकार : चलात तर. कामाक लागात.
क. : हांव ?
म. : काय हांव ?
भाटकार : दोगूय ! –– रावात. (घड्याळ दाखोवन) ही पळय, बारा वरां जायत आयल्यांत. दिस्त बारांक कामाक लागात. फुडल्या वर्सा ह्याच दिसा दिस्त बारा वरांचेर तुमकां पगार पडटलो.
क.–म. : बरें भाटकारा.....!
भाटकार : कर्त्या, हांगा यो.
क. : येयलों भाटकार
भाटकार : अट कसली घाल्या ?
क. : एका चूकेक पन्नास रुपया कट
भाटकार : मर्त्या, हांगा यो
म. : येयलों भाटकार
भाटकार : अट कसली घाल्या ?

म. : तीच
भाटकार : खंयची ?
म. : कर्त्यांन सांगल्या तीच.
भाटकार : तुज्या तोंडान सांग.
म. : एके चुकेक पन्नास रुपया कट.
भाटकार : शाबास ! चलात. फाटले खोपींत लाकडांचे लोळगे आसात, ते फोडूंक लागात. फाल्यां दनपार मेरेन सगळीं लाकडां फोडून सोपूंक जाय. हांव एक घांट वाजयतलों तेन्ना जेवंक येवपाचें.
क.–म. : बरें भाटकारा.

(दोगूय वतात. भाटकार मुमुर्ख्यांनी हांसता)

* * *

(दोगूय लाकडां फोडपाचो अभिनय करतात. कांय वेळान घांट वाजयल्याचो आवाज. काम बंद करून हात धुवपाचो अभिनय करतात.)

क. : मर्त्या घांट वाजली.
म. : पोट भरपाचो वगत जालो.
क. : आमच्या थंय धुकरांक अशो घांटी मारतात.
म. : धुकरां खूब बरीं. काम करीनासतना पोट भरतात.
क. : आमी बैल.
म. : आमकां जोताक बांदल्या ?
क. : कितलें म्हणून काम करप ?
म. : देमायज काम.
क. : पांच मिनटां बसूंक मेळना.
म. : इडि ओडपाक फुरसद मेळना
क. : जेवता आसतना मात्शें बसूंक मेळटा ते व्हडलें.
म. : रातचें न्हिदूंक सोडटा ते उपकार
क. : म्हजीं सगळीं हाडां खिळखिळीं जालीं
म. : म्हजें सगळें मास फुसफुशीत जालें
क. : तसो हांव कामाक फाटीं नारे
म. : हांव सगळ्यान फुडे

क. : पुण हें काम चडूच जाता
म. : खूप जाता
क. : धा मनशाचें काम आमी दोगूच करतात
म. : पांच मनशाचें काम हांव एकटो करतां
क. : कुळागरांतलें काम
म. : दोंगरांतलें काम
क. : भाटांतलें काम
म. : शेतांतलें काम
क. : घरचें काम
म. : भायलेंय काम
क. : सगळीं कामां आमच्याच माथ्यार
म. : आपुण मात पांयार पांय उडोवन बसता. भाटकार कसो
क. : भाटकारूच तो–
म. : चुकलों, चुकलों
क. : आमचो काडटा कुंडो
म. : फेणेंर काडटा फेणेंर
क. : वर्स सोंपसर उरत मरे आमी ?
म. : पगार घेवपाक बांचत मरे आमी ?
क. : पोटभर जेवल्यार वांचत.
म. : पोटभर वाडल्यार जेवतले
क. : एकदां वाडटा तितलेंच
म. : तें पोटाक पावता ?
क. : हांव केन्ना वर्स सोंपता काय पयतां
म. : हांवूय तीच वाट पयतां
क. : चल पयलीं पोट भरया
म. : भरया खंय ? अर्देंच सांडया
(दोगूय वतात)

* * *

(कर्तो आनी मर्तो येतात. कर्त्याच्या हातांत गुंड्यांनी भल्लेलें एक लात आसा)

म. : कर्त्या, रकय गुंडे. मेजून पळोवया.

क. : मेजपाची गरजूच ना. कोंत सारकें आसा. तीं तीनूय लातां सारकीं भल्ल्यांत.
म. : तीनाय लातांनी शंबर शंबर गुंडे आसात. हावें चार फावटी मेजल्यात.
क. : हांयें दोन फावटी मेजल्यात. त्या तीनाय लातांतले कितले गुंडे जाले ?
म. : एक शंबर, दोन शंबर, तीन शंबर--तीन शंबर जाले
क. : तीनशें. ह्या लातान तीन वीसो आसात. तीन वीसो म्हणचें कितले जाले ?
म. : एक वीस, दोन वीस, तीन वीस--कितले जाले ?
क. : साठ. तीनशें साठ जाले. हे चार हांयें तुवाल्याक बांदून कुशीकूच दवल्ल्यात. कितले जाले ?
म. : तीनशें, आनी साठ आनी चार
क. : आनी हो एक गुंडो आयच्या दिसाचो. कितले जाले ?
म. : पांच
क. : तीनशें पैंसट जाले
म. : जाले....जाले... तितलेच जावंक जाय ते. आयज आमचें वर्स सोपलें आतां आमकां पगार पडटलो. म्हाका शंबर रुपया, तुका शंबर रुपया. दोनशे रुपया
क. : मर्त्या, वर्सभर तुवें एकूय चूक करूंकना मरे ?
म. : च्ये. हांयें सगळीं कामां सारकीं केल्यांत
क. : हावेंय केन्नाच चूक करूंकना
म. : तो पळय भाटकार येता

(भाटकार येता)

क. : भाटकारा, भाटकारा...
म. : भाटकारा, भाटकारा...
भाटकार : कर्त्या–मर्त्या तुमी दोगूय बेकार कशे उल्ले रे ? तुमकां पगार दितां तो काम करपाक मरे ?
क. : हय भाटकारा
म. : सारकें भाटकारा
भाटकार : तुमकां पोटभर जेवण घालतां तें कित्याक रे ?
क. : काम करपाक भाटकारा.
म. : कश्ट करपाक भाटकारा.

भाटकार : तुमी हांगा येवन चकाटां मारतात म्हणचें कितें ?
क. : आमचें जालें भाटकार.
म. : सोपलें आमचें.
भाटकार : त्या गोठ्याची पारेत अुबार करूंक लायिल्ली मरे तुमकां ?
क. : केली भाटकार.
म. : अुबार केली.
भाटकार : केली मरे ? रोकडेच दुसरें काम करचें. अशें चकाटां मारून पगार घेवपाक सोबता तुमकां ?
क. : बारा वरा जावन गेलीं भाटकारा
म. : साडेबारा जावची जालीं
भाटकार : मागीर ?
क. : घे भाटकार (पांच गुंडे भाटकाराक दाखयता)
म. : मेज (फातरानी भल्लेलें लात फुडें करता)
भाटकार : हें किते रे ?
क. : गुंडे
म. : फातर
भाटकार : सामके फातर मरे तुमी. हे म्हाका कित्याक ?
क. : तीनशे पैंसट आसांत
म. : आयच्या दिसाचो धरून पैसट
क. : वर्स सोंपलें
म. : आतां आमचो पगार
भाटकार : आं ... ती याद बरी अुल्ल्या मरे तुमकां ! कामाकडे लक्ष ना तुमचें. वर्सभर तुमचे दोळे ह्याच दिसाकडें लागिल्ले काय कितें रे ? आयज तुमचो निमणो दीस. खबर आसा म्हाका. पुण म्हाका सांगात रे
क. : कितें भाटकार ?
म. : विचार भाटकार
भाटकार : तुमी काम कितल्या वरांचेर सुरू केल्लें याद आसा तुमकां ?
क. : बारांक
म. : दनपारच्या बारांक
भाटकार : अजून बारा खंय जाल्यांत ? बारा जावपाक अजून पंदरा मिनटां उल्ल्यांत पंदरा

क. : घड्याळ फाटीं घुंवडांयलें कितें रे ?
म. : म्हाका दुबाव मारता. मोटो चिकाणेर
क. : भाटकारा पंदरा मिनटांचें आमकां काम दी
म. : आमी करतात
भाटकार : म्हजीं अजून दोन कामां उल्लयांत. ती करात आनी मागीर वचात
क. : बरें भाटकार
म. : इतलीं केल्यांत थंय तीं दोन करपाक व्हडलें !
भाटकार : कामां चड कठीन न्हय. पंदरा मिनटां सोपच्या पयलींच जातलीं तीं
क. : आनी पांच मिनटां सुबेज जालीं म्हूण कांय पर्वा ना
म. : धा मिनटां पसून सुबेज जाल्यार उपकरता. आमी दनपरां जेवनूच वचपी
भाटकार : ना, ना. जेवन वचूंक मेळचेंना. तुमची सिरवीस बारांक सोंपता. आमचे जेवण एकाक जाता
क. : बरें भाटकारा आमी जेवीनासतना वयतात
म. : उपाशीच वयतात
क. : काम सांग भाटकारा
म. : बेगीन सांग
भाटकार : काम जालेंना जाल्यार तुमकां पगार मेळचोना. हीं निमणीं कामां हांव सांगतां तशीं करात, आनी पगार व्हरात
क. : बरें भाटकार
म. : कबूल
भाटकार : पयले काम—म्हज्या सगळ्या भाटांचो वालोर करात. दुसरें काम—म्हज्या पोटाचें वजन कितलें तें सांगप. बारा जावचे पयलीं हीं दोनूय कामां जालींना जाल्यार तुमकां पगार मेळचोना.

(भाटकार वता)

म. : कत्र्या
क. : कितें मत्र्या
म : तूं खंयचें काम करता ?
क. : तूं खंयचें करता ?
म. : हांव पयलें, तूं दुसरें
क. : नाका, हांव पयलें, तूं दुसरें
म. : हांव पयलें

क. : बरें बाबा, तूं पयलें कर
म. : कसलें काम तें परतून एक फावट सांग पळोवया
क. : भाटकाराच्या भाटांचो वालोर करप
म. : खंय वचपाचें ? पंचायतींत गेल्यार काम जातलें ?
क. : पंचायतींत न्हय, पणजे पसून गेल्यार हें काम जावपाचें ना. आरें, ताज्या भाटांचो वालोर करपाक ताजीं भाटां कितलीं आसात ते कळपाक नाका ? आनी ते कळटलें जाल्यार भाटाचीं कागदां मेळपाक जाय
म. : कागदां मागून घेवया
क. : तो कागदां दिता तुका ? आनी दिलींय म्हणून तुका तीं वाचूंक कळटा ? मेजूंक कळटा ?
म. : हें गुंडे मेजूया
क. : तुजे तकलेंत गुंडेच भल्ल्यात
म. : हे काम बरेंच कठीन. तूंच कर तें. हांव दुसरे करतां
क. : दुसरें करता ? भाटकाराच्या पोटाचे वजन सांगशी तूं ?
म : म्हणचे ?
क : भाटकाराचें पोट कितले कील आसा तें सांगशी ?
म. : म्हाज्या देवा ! तें आमच्यानी सांगूक जाता ?
क. : तूं करता मरे हें ?
म : हांव करीना
क. : तूं खंयचे करता तर ?
म : हांव...खंयचेंच करीना
क. : पगार मेळचोना. वर्सभर काम करून फुकट
म. : त्या भामटयान कास्ताची तकली लडयल्या मरे !
क. : आमकां नाडपाची तकली ती
म. : खरेंच ! त्या भामटयाचें चित्र काडूं नज
क. : मर्त्या, भाटकार आमच्या कानांत घालूंक सोदता
म. : आमकां शेंडी लावंक सोदता
क. : आमचो पगार खावंक सोदता
म. : दोनशें रुपया गिळूंक सोदता
क. : आमकां नाडूंक सोदता
म. : फटोवंक सोदता

क. : लुटुंक सोदता
म. : नागोवंक सोदता
क. : नागोवणो
म. : चोर
क. : फटींग
म. : शू ऽ ऽ
क. : हळू उलय....मत्यां, आमीय तकली लडोवंक जाय
म. : कत्यां आमीय आयडीया काडूंक जाय
क. : ताका बूद शिकोवंक जाय
म. : कश्टांचें फळ मेळूंकूच जाय
(दोगूय येवजितात. दोगांकूय एकाच वेळार सुचता)
दोगूय : अूं ऽ ऽ ऽ हां---
क. : आयडीया
म. : आयडीया
क. : तुजी पयलीं सांग
म. : तुजी पयली सांग...तुजी बरी आसतली
क. : तुजी बरी आसतली--ना, ना. म्हजीच बरी. मत्यां आयक. ताजेकडें भाटां आसात म्हणून तो भाटकार. सारकें ?
म. : सारकें
क. : भाटां नासलीं जाल्यार तो भाटकार जावपाचो ?
म. : केन्नाच ना
क. : भाटां नासलीं जाल्यार ताका वालोर आसतलो आसलो ?
म. : कुस्कूट ना
क. : तेज्या भाटांक वालोर, म्हणून तेका वालोर
म. : हें सामकें
क. : भाटांचो वालोर तोच तेजो वालोर
म. : एकदम बरोबर
क. : तेजो वालोर तोच भाटांचो वालोर
म. : जालेंच
क. : आतां सांग--आमी जर भाटकाराचो वालोर केलो जाल्यार भाटांचो वालोर मेळळोना ?

म. : सारकें. सोळा आणे
क. : आरे ! तकली कोणाची !
म. : कर्त्याची ! कर्त्या, हांवूय तुज्या इतलोंच हुशार मरे
क. : कसो ?
म. : तुजे तकलेंत येयल्या पळय तीच आयडीया म्हाज्याय तकलेंत येय्लेली. पुण भाटकाराचो वालोर करप कसो ?
क. : तें हांव तुका मागीर सांगतां. पयलीं तेज्या पोटाचें वजन करूंक जाय
म : तें कशे करप ?
क : कसलेय वस्तूचें वजन कशे करतात ?
म. : सांगू ? वस्त तागडेंत घालून जोकतात
क. : तशीच ही जोकप
म. : पुण तेजें पोट काडटलो कशें ?
क. : तकली, हात आनी पांय काडले कि पोट निखळावप साप सोपें
म. : (पळयत उरता)
क. : समजूंक ना ? (ताज्या कानांत कितेतरी तांगता)
म. : आं...? हां हां...सारकें
क. : शेराक सवायशेर
म. : सवायशेर न्हंय. म्हारग शेर. शेर म्हणचें वाग
क. : वाग न्हय, शींव. उडय हात !

(दोगूय हातार हात दितात)

म. : कर्त्या, तूं कितेंय सांग. आमी दोगूय सारकेच हुशार ! ह्यो दोनूय आयडीया तुजे तकलेंत येयल्या पळय, सारक्यो तशोच म्हाज्याय तकलेत येयलेल्यो
क. : मर्त्या, बारा जावचे पयलीं काम सोपूंक जाय
म. : नाजाल्यार पगार मेळचोना
क. : पयली हात, पांय आनी तकली निखळावपाची. मागीर पोट काडून तागडेंत घालपाचे. चल. तुजें हत्यार घेवन यो

(दोगूय भितर वचून कोयते घेवन येतात)

क. : मर्त्या, सांबाळून आं. खऱ्यानीच कातरशीत बी. दोगांकूय जिवितभर भितर बसचें पडटलें
म. : कर्त्या, इतलो पिसो हांव ? मनशाक मारप म्हळ्यार व्हड पातक आनी

तें केल्यार जिवितभर बंदखणीत बसून त्या पातकाची भोकसुणी दिवची पडटा हें अक्कल नासलेल्या पिशाक पसून खबर आसा
क. : चुकून सुद्धां रगत गळोवंक फावना
म. : कांयच भिवं नाका. हांव दिस्त करता तें
क. : भाटकारा...(नाटकी आव)
म. : ये भाटकारा...
क. : भायर यो
म. : सर भायर
क. : बेगीन यो
म. : सामको बेगीन

(भाटकार येता)

भाटकार : कितें जालां रे तुमचें ? बोबो कित्याक मारतात रे ? कोण खांवक आयला ?
म. : आमी
क. : भाटकारा आमी तुजीं दोनूय कामां केलीं
म. : सारकीं केलीं
क. : तुज्या सगळ्या भाटांचो वालोर आमकां मेळ्ळो
म. : सारको मेळ्ळो
क. : तुज्या पोटाचें वजन आमकां कळ्ळें
म. : सारकें कळ्ळें
भाटकार : सांगात पळोवया
क. : भाटकारा, जितलो तुजो वालोर तितलोच तुज्या भाटांचो वालोर
म. : सारको तितलोच
क. : तुज्या भाटांचो वालोर करपाक पयलीं तुजो वालोर करचो पडटलो
भाटकार : कितलो तो सांग रे ! जाणवायो कित्याक ?
क. : त्याखातीर तुकां तुकचो पडटलो
भाटकार : म्हाका तुकचो पडटलो ?
म. : हय. तागडेंत घालून
क. : तुज्या पोटाचें वजन करपाक तुजें पोट निखळावचें पडटलें
म. : आनी पोट निखळावपाक हात, पांय आनी तकली सोडोवची पडटली
क. : काडून कुशींक दवरची पडटली

म. : कोयत्यान कातरची पडटली
क. : मत्र्या
म. : हय सायबा
क. : पयलीं तकली उडोवपाची
म. : हय सायबा
क. : मागीर हात
म. : हय सायबा
क. : उपरांत पांय
म. : हय सायबा
क. : मागीर पोट
म. : हय सायबा
क. : बारीक बारीक कुडके करपाचे
म. : हय सायबा
क. : आनी तागडेंत घालपाचे
म. : हय सायबा
क. : बाजारांत व्हरून विकपाचें
म. : कशें कील सायबा
क. : धुकराचें मांस कशें कील मेळटा ?
म. : वीस रुपयान सायबा
क. : तशेंच विकपाचें
म. : बरें सायबा
क. : दोनशें रुपया आयल्यार पुरो
म. : शंबर म्हाका
क. : शंबर म्हाका

(भाटकार भियेला)

क. . चल. पयलीं तकली
म. : तूं घट धर, हांव कातरतां
भाटकार : मत्र्या, कत्र्या, मारतलों, पेटटलों
क. : मत्र्या, हेजे हात आनी पांय चडूच हालतात. ते आमका काम करपाक दिनात.
म. : हय सायबा

क. : ते पयलीं कातल्ल्यार बरे

म. : हय सायबा

क. : तूं त्या पांयाक धर

(दोगूय दोनाय पायांक धरतात. भाटकार बोबो मारता)

भाटकार : धांवात रे, पावात रे, म्हाका मारता, म्हाका चीरता, येयात रे, सोडात रे....

(भाटकाराक आडवो घालून कर्तो ताजे हात घट धरता. मर्तो भाटकाराचो एक पांय आपल्या पांयान जिड्डून धरता. दुसरो पांय आपल्या खांदार घेवन कोयतो उबारता)

भाटकार : दितां–दितां, पगार दितां. म्हाका मारू नाकात

म. : कितलो दितलो ?

भाटकार : जाय तितलें दितां. म्हाका मारू नाकात. सोडा म्हाका. पांया पडटां

क. : मर्त्या, सोड ताका

(मर्तो सोडटा)

म. : आतां कसो जाग्यार आयलो ! उडय आमचो पगार

भाटकार : दितां. कितले दिवं ?

(मर्तो कर्त्याक पळयता)

क. : आमकां तुजे नागोवणेचे दुडू नाकात. आमचे कायद्याचेच दी. दीता म्हूण कबूल केल्ले तितलेच दी. एक पयसो सुबेज नाका

म. : शंबर म्हाका

क. : शंबर म्हाका

(भाटकार मोन्यानी दोगांकूय शंबराची एक एक नोट दिता)

विसरो वासू

(पयस उबो आशिल्ल्या वासूक रायू जनेलांतल्यान उलो मारता)

रायू : वासुदाद ऽऽ ! ये वासू ऽऽ ! ये वासूदाद !

वैनी : (भितल्ल्यान) कितें जालां ? आडुतात कित्याक व्हडाव्हडान ?

रायू : हांगा यो दाखयतां.

वैनी : तुमीच पळयात तें. म्हाका कामां आसात.

रायू : (नदर भायरूच) आरे–मरतलो...

वैनी : (जनेलाकडेन वता) कितें जालां कोणाक ?

रायू : हो ऽऽ तो अुबो आसा तो वासू न्हय ?

वैनी : त्या झाडामुळांत आसा तो ?

रायू : झाडामुळांत न्हय. रस्त्यार सामको मदीच आसा पळय तो.

वैनी : वासूबशेनूच दिसता खरो

रायू : दिसता न्हय. वासूच तो. –सामको रस्त्या मदी रावला पळय कसो

वैनी : पुलीस बी जाला आसतलो

रायू : ताका आनी पुलिसेंत कोण घेता ! चोराक धरून हाड म्हळचार तो मामलेदाराकूच हाडपी

वैनी : आवयस् ! गाडयोपसून ताका वोल्तां मारून कुशीच्यान वतात. पडत मू तो गाडयेपोंदा. अुलो तरी मारात ताका.

रायू : अुले माल्ले कितले ! ताका आयकूंक खंय येता ? तो भयंकर कितेंतरी चिंतता आसतलो. वासुदा ऽऽ द !

वैनी : शेवोणी घालून पळयात. (रायू शेवोणी घालता.) ती कोणांक आयकूंक येता ? तोंडांत बोट घालून मारतात ती घालात

(रायू तोंडांत बोटां घालून प्रयत्न करता. जायना. अितल्यान ताका कोणतरी दिसता.)

रायू : आरे बाबुश, हो ऽ तो रस्त्यार अुबो आसा ताका मात्सो हात लाय

वैनी : ताज्या विसरपाक सीम आनी मेर आसा. आपुण खंय अुबो आसा हेंच विसरून गेला आसतलो तो. आसूं थंयच ताका. साडेबारा जालीं. जेवण घेवन वचूंक जाय, तयारी करात

रायू : साडेबारा तुजीं ! अजून साडेबारा अुल्लयांत ?

वैनी : ढां ऽ ऽ व करून तांच्या घड्याळीची अेक घंटा वाजल्या ती हांवें आयकूंकना कितें ?

रायू : साडेबारांक अेक घंटा वाजता, अेकाकूय अेकूच वाजता आनी देडाकूय अेकूच वाजता. म्हणून देड वाजलें तरी तूं साडेबाराच म्हणटली ? पळय (घड्याळ दाखयता)

वैनी : आवयस् ! म्हणचें आतां देड जालें ?

रायू : चल बेगीन दबो भरून दी

वैनी : हय बाये ! अेक खतखतो काडटां आनी वाळटां शीत. प्रकाश म्हजो अेकटोच आसा हॉस्पिटलांत काकी म्हऱ्यांत भुकेला आसतलो पोर म्हजो.

रायू : तुकां तुज्या प्रकाशाचें पडलां. म्हाका बेगीन वचूंक जाय हॉस्पिटलांत. सकाळी धांक आयिल्लों तिज्या म्हऱ्यांतलों.

वैनी : अितलो आवयचो हुस्को जाता जाल्यार येतात कित्याक घरा ? थंयच रावात खाटीक घट धरून. प्रकाशाक धाडटां हांवं जेवण घेवन. नाजाल्यार कोणूय भूरगो मेळटा जाल्यार पळयात जेवण व्हरपाक.

रायू : आतां बेगीन दबो भरून दी. वतां हांवं.

(वैनी भीतर वता वासुदाद येता)

येयात वासुदाद रस्त्या मदीं अुबे रावून खंयच्या गाडयेची वाट पळेताले ? हॉस्पिटलांत बी वचपाचें आसा काय कितें ?

वासू : जाली–जाली. रायूबाब, याद जाली

रायू : सांगून अुडयात बेगीन

वासू : रायूगेर येवंक जाय आशिल्लें अितली याद जाली

रायू : कित्याक म्हणून ?

वासू : आतां ती याद करतां.

राय़ू : बसात. सवकासायेन याद करात –आनी हें कितें ? पायांक अेकूच जोतें ? दुसरें खंय ?

वासू : कोणागेर तरी भितर सल्लो थंय विसल्लों जावंक जाय.

राय़ू : कोणागेर गेल्ले तर तुमी ?

वासू : तें आनी कोण याद करीत बसतलो !

राय़ू : वासुदाद, दनपारच्या कडार, वोताच्या रखरखांत रस्त्यार मदींच अुबे रावून करताले तरी कितें तुमी ?

वासू : म्हणचें ? हांव रस्त्या मदींच अुबो आशिल्लों ? खंयतरी वचूंक जाय हेंच हांवं येवजितालों. कोणेंतरी हात लायलो आनी तूं आपयता म्हणून सांगलें तेन्नाच तुगेर वचूंक जाय म्हणपाची याद जाली

राय़ू : आनी हांगा येतकच काम कसलें तें विसल्ले. (दोगूय हांसतात) ...वासुदाद, म्हाका मात तुमचीं कॉमीक दिसता आं. ब्रम्हदेव याद वांट्टालो तेन्ना तुमी दोकीक गेल्ले जावंक जाय

वासू : हांव न्हय. तोच गेल्लो आसूंये दोकीक (दोगूय हांसतात) ... आगे अिल्लें च्यायेक उडय राय़ूबाब आयला

राय़ू : (हांसता) वासुदाद, घर म्हजें. तुमी आमगेर आयल्यात. हावें तुमकां च्या दिवपाची

वासू : हय ? (हांसता)

रायु : असलें विसरप म्हळचार चडूच जाता आं तुमचें

वासू : कितें करतलों ? जल्माचीच खोड ती म्हजी

राय़ू : वासुदाद, अेकान अेक गजाल तुमी विसरतात. पुण घरची वाट केन्नाच कशे विसरनात ? चुकून दुसऱ्याच्या घरांत भीतर सरनात

वासू : ना कशें ? अेक दीस तोय प्रसंग आयलो

राय़ू : कितें म्हणटा गा ? म्हणचें चुकून दुसऱ्यागेर वचून बसले काय कितें ?

वासू : शी . . शी . . ! याद काडू नाका त्या प्रसंगाची. ती गजाल आनी कोणाक सांगपाचीच न्हय

राय़ू : अशें घडलें तरीं कितें ?

वासू : तेप खूप जालो ते गजालीक. लग्ना उपरांतची खबर ती. पुण रायुबाब, सांगपाक पसून लजशी

राय़ू : वासुदाद, हें कितें ? म्हाकांय सांगपाक लजतात ?

वासू : लजना. पुण अेक मतीत आसूंदी. तुज्या–म्हज्या भीतर. तिसऱ्या

कोणांक कळूंक फावना

रायू : वासुदाद, ह्या कानाची खबर ह्या कानाक कळचीना

वासू : कानाचें सोड ! वैनीक बी सांगशीत

रायू : वासुदाद, जाणा हावं. दादल्यांक कसलोय सेगरेत सांगचो. आमचें ह्या कानांत आयकले जाल्यार ह्या कानांतल्यान भायर सरतलें. पुण बायलांचें तशें ना. तीं दोनांय कानांतल्यान आयकतात आनी तोंडातल्यान भायर सोडटात

वासू : हें जाणा तर तूं. तशे जाल्यार आयक --- खंय गेल्लों . . हावं . . . ? हां . . . मावोडचां गेल्लों. म्हज्या सभावाची मावोडच्या लोकांक खबर आशिल्लीच. हांव खंयच्या खंय पावत म्हणून थोडया दिसां-पुरतो एक मेवणो ताणी म्हाकांच दिल्लो. तो म्हाका सगळयाक भोंवडावन हाडटालो. हांवं तितलो विसरो न्हय हें तांकां दाखोवपा-खातीर अेक दीस कोणांक कळनासतना हळूच उठलों आनी फाटल्या दारांतल्यान भोंवडेक म्हणून अेकटोच भायर सल्लों

रायू . रातचो काय दिसाचो ?

वासू : सकाळीफुडेंच . . . तर चलतां चलतां हांव रस्तो विसल्लों आनी गांवूय विसल्लों

रायू : आरेरे ! आतां गोंदळ

वासू : अितलेंच न्हय. हावं मावोडचां आयलां म्हणपाचेंय विसरून गेलों

रायू : आवयस् ! मागीर ?

वासू : आमच्याच गांवांत भोंविल्ल्यावरी हांवं भोंवूंक लागलों करतां–करतां आमच्या घराकडे पावलो

रायू : जांव. देवूच पावलो. -- पुण वासुदाद, अितले पयस चलत आयले तुमी ?

वासू : न्हय रायुबाब, तें आमचें घर न्हय. आमच्याच घरासारकें दिसतालें तसलेंच दुरीग. म्हसगाचें झाड, आनी आंगण. सगळें तशेंच. हांव सदचेवरी भीतर सल्लों. बूट काडले, आनी सोमतो कुडीत गेलों. जाल्यार बायल खाटीर अुपडी न्हिदल्या

रायू : ती थंय कशी पावली तर ?

वासू : म्हजी न्हय. कोणाची कोण जाणा त्याच घरांतली कोणायची आसतली. आतां म्हळें थंडशे चार तामये आंगार वोततलों आनी मागीर जेव-

तलों. म्हणून आंगाचे कपडें काडले आनी भेंडाक तुवालो गुटलायलो. न्हावच्या पयलीं म्हळें हीका उठयतलों म्हणून असो हात लायलो. तिणे फाट वळून पळेले आनी पळय अशी एक किळांच माल्ली. वाडचा-वयलो सगलो लोक एकठांय जालो. आनी म्हाका पळय तांणीं धपटीला, सुजयलो न्हय म्हाकां मारून मारून त्या लोकांनी. भिकूण चिड्डूंक नकळ आशिल्लया पोरांनी पसून आयतो चान्स मेळळो म्हणून हाताची खाज काडून घेतली. येदे–येदे गांजुड्डे लेगीत मेळत थंय मुठी मारताले.

रायू : मागीर गा ?

वासू : मागीर आनी कितें ? तसोच उबारून व्हेलोना तांणी म्हाका पुलिसेंत !

रायू : म्हण्टकूच लोकांचो पेट खावचे खावन पुलिसेचोय लडो खालो तर तुमी.

वासू : ना. देवाधर्मी तो पेट चुकलो

रायू : कसो ?

वासू : म्हजे सगळे मेवणे हांव शेंणलों म्हणून गांवभर सोदून–सोदून पुलिसेंत केस करपाक आयिल्ले. खरें सांगतां रायूबाब, म्हजे मेवणे लेगीत म्हाका वळखूंक विसल्ले, इतलो तांणी म्हाका मारून सुजयल्लो. चार दीस सगळ्या आंगाक जिरेंच थापून आशिल्लों. त्या माराच्या निमतान हांव पळय आंगान मोठो जाल्लों तो अजून तसोच आसां. (दोगूय हांसतात) पुण रायुबाब, म्हजें म्हाकाच एक अजाप दिसता.

रायू : कसलें तें ?

वासू : हांव आतांचे आतां विसरतां. पुण इतल्या तेंपाची ही घडणूक मात अजून ताजी आसा

रायू : कशे विसरतले ? याद उरची म्हणून दिल्ले लडे अजून फाटीर आसतलेच. (हांसता) वासुदाद, तुमच्यो विसरपाच्यो गजाली आयकून म्हाकाय विसरूंक जालें––आगे जालें जेवण ?

वासू . नाका रायुबाब, म्हाका जेवपाक अजून वेळ आसा

रायू : तुमकां जेवपाक न्हय. हॉस्पीटलांत दबो व्हरपाक

वासू : जाता–जाता

रायू : कितें जाता ?

वासू : कित्याखातीर आयिल्लों ताजी याद जाता

रायू : सांगात, विसरच्या पयलींच सांगून उडयात

वासू : विसल्लों ! दुसरो कोणूय असो आबूझ जालो म्हण्टकच चड बेगीन विसरतां हांव

रायू . कॉमीकूच बाबा तुमची. वासुदाद, तुमचीं सगळीं कॉमिकॉ एकठांय केरीत जाल्यार एक मोठें पुस्तक जातलें. बसात आं. रकाद धाडपाक कोणूय भूरगो मेळटा जाल्यार पळयतां

वासू : बरें–बरें. वरांय खूप जालीं न्हय

रायू : तुमी बसात वासुदाद

वासू : तसो हुसको करू नाकां तू म्हजो. (रायू वता) आगे जेवण जालें मगे ? म्हाकां इल्लें न्हावपाक उदक काड पळोवया (आंगाचे कपडे काडीत भीतर वता. थोडया वेळान भितल्ल्यान वैनीची किळांच आनी बोब आयकूंक येता. रायू धांवून येता आनी तसोच भीतर वता आनी वासूक धुकळीत भायर हाडटा)

रायू : वासुदाद, हें कितें चलयलां तुमी ?

वासू : रायूबाब, तिजें मनार घेवं नाकात तुमी. किळची मारूंक आयकचना ती. बसात. तुमी रोकडेचशे आयले ?

रायू : वासुदाद, वासुदाद, हें घर तुमचें न्हय. हांव तुमगेर येवंना. तुमी आमगेर आयल्यात. ती म्हजी बायल

वासू : हय ? शी शी (कपलार हात मारता) रायुबाब, तुमी म्हजी गजाल जाणात म्हाका मारूं नाकात. पुलिसेकडे दिवं नाकात. गावांत सामकी अब्रू वतली म्हजी

रायू : घेयात, तुमचे कपडे घालात

वासू : देव बरें करूं. तरी बरें, इतल्यानूच सुटलों. रागार जावं नाकात आं रायुबाब

रायू : तुमचेर आनी रागार कितें जातलों. हांवं जाणाच न्हय तुमची खोड. पुण तुमी कित्याक आयिल्ले तें अजून सांगूना.

वासू : हय. सामकें तेंच विसरूंक जालें पळय (वैनी जेवणाचो दबो घेवन येता. वासूक दोळे करून पळयता)

वैनी : तुमी अजून हांगाच आसात ?

वासू : कित्याक गे वैनी म्हजेर तापताशी ?

वैनी : आनी कितें करूं तर ? तुमी केलां तें करपाचें ?

वासू : हांवें तुका कितें केलां गे वैनी ?

वैनी : आनी कितें करूंक जाय आसलें ?

रायू : वासुदाद, वदळ तुमी तिज्या फाटल्यान भीतर गेल्ले ती गजाल सांगता ती

वासू : हां–हां ! याद जाली. वैनी, खऱ्यानीच सोपूत घेवन सांगतां. हांवें तें बळयां करूना

वैनी : पाड पडूं तुमचे यादीक. (रायूक) घेयात, जेवण भल्लां.

वासू : जेवपाच्या वेळार जेवण घेवन खंय वच म्हण्टा गे वैनी ?

रायू : हॉस्पिटलांत वतां मात्सों, प्रकाशाक जेवण घेवन

वासू : म्हणचें तुमच्या प्रकाशाक हॉस्पिटलांत घाला ?

रायू : प्रकाशाक घालूंना. आमची काकी म्हणचे म्हजी आवय आसा न्हय हॉस्पिटलांत. तिज्या म्हऱ्यांत प्रकाशाक दवल्ला

वासू : जाता आं. . .याद जाताशी दिसता

वैनी : कितें विसल्ले ?

रायू : कितें विसल्ले तीच याद जायना तांकां

वैनी : इतलेच मू ! तुमी वचून येयात हॉस्पिटलांत तोमेरेन हांगा बसून याद करूंदी तांकां–नाका, नाका. तांकां घेवनूच वचात. आनी बेगीन येयात, म्हाका मागीर भायर सरूक जाय

रायू : तूं आनी आयज खंय वतली ?

वैनी : अशें कितें ? चंद्रचाचो घोव भायर पडलो खबर ना ? तिका पाचारून येतां

वासू : चंद्रचाचो घोव मेलो ?

वैनी : हय ! काल मेलो बाबडो. आमचे काकीबायचे खाटीक तेंकूनूच आशिल्लो हॉस्पिटलांत. वचचेंच पडलेंना मेळपाक ?

रायू : वासुदाद, चलात. हांव तुमकां तुमच्या घराकडे सोडून येतां

वासू : काकीबायचे खाटीक तेंकून आशिल्लो तो मेलो ?....हां, याद जाली. हांव आयिल्लों तुमकां सांगपाक––

रायू : सांगात बेगीन

वासू : (एकदांचें सांगून उडयता) तुमची काकीबाय मेली

बायल : कितें ?

रायू : कितें सांगता तुमी हें ?

वासू : हय रायुबाब. वायट गजाल. हांव आतां हॉस्पिटलातसून आयलां

काकीबायक मेळपाकूच म्हणून गेल्लो हांव. पुण म्हज्या दोळ्याहुजरांच जीव सोडलो तिणे. तुमच्या प्रकाशान म्हळें, मात्सो रकाद पावय म्हणून घराकडें. आनी तिका व्हरपाक गाडी घेवन यो म्हणून सांगलां.

रायू : (रडत) म्हजी काकीबाय गेली आनी ही वायट खबर तुमी विसल्ले वासुदाद ? कितें म्हणचें तुमचे यादीक...

वैनी : (रडटा) आमची काकीबाय आमकां सोडून गेली...

वासू : म्हजी चूक जाली रायूबाब. वदळपसून म्हाकां यादूच जायना जाली. तरी जेवण घेवन वचच्या पयलींच अुगडास जालो तें अेक बरें जालें.

रायू : काकीबाय... म्हजी काकी . बा... य...

(रायू रडटा आसतनाच काळोख जाता. अुजवाड जाता. रायू न्हिदांतूच रडत आसा. वैनी आनी वासू ताका अुठयतात.)

वैनी : हें बाये कितें ! रडटात कितें भुरग्याबशेन ? अुठात पळोवया... अेक जालें भायर अुठात म्हळचार. वासुदाद कसलो रकाद घेवन आयला तें तरी पळयात.

वासू : रायूबाब, कितें न्हीदप हें ? कुंभकर्णाक फाटीं घातलो तुवें. तो न्हीद-तना फकत न्हीदपाचेंच काम करतालो. तूं न्हीदपाचें आनी रडपाचें दोनूय कामां वांगडाच करूंक लागलो.

रायू : वासुदाद ! खऱ्यानीच वासुदाद . . तुमी... ?

वासू : खऱ्यानी म्हळचार ? तूं कितें भलतें–सलतें समजलो काय कितें ?. . असो बारकायेन म्हज्या पांयांक सो पळयता ? म्हजे पांय परते आसा-तशें दिसले तुकां ? रायुबाब, तुकां जालां तरी कितें ? कसलें सपन बी पडले ?

रायू : वासुदाद, तुमचें अेक जोतें खंय ?

वासू : अेक कित्याक, दोनूय जोतीं सामकीं दारांत दवल्ल्यांत. ही पळय. (हाडून दाखयता)

वैनी : अशें कितें ? सगळें सांडून जोतेंशें ?

रायू : वासुदाद, तुमी कांयच विसरूंकनात ?

वासू : पळयलें मिगे वैनी, अशी लज करता. रायुबाब, हांवं विसरतां म्हूण सगळो गांवं जाणा. पुण आयचो रकाद दिवपाक हांवं कसोच विसरपाक ना.

रायू : कसलो रकाद ?

वासू : सांगतां. सोमतें बरोबनूच दिलां तुज्या प्रकाशान. त्याभायर अिस्पीशेल रिक्षा करून दिली आनी आपणेच रिक्षावाल्याक सांगलें, अमक्यागेर व्हरून पावय म्हणून. आनीक विसरतलो कसो ? येवचे येवन पयलीं वैनीक सांगून मेकळो जालों.

रायू : कितें तें ? कितें सांगला प्रकाशान ?

वासू : राव आं... याद करतां... तें कागद खंय... अुडयलें (बोल्सांत सोदता)

वैनी : दोतोरान सांगलां खंय, काकीबायक व्हर म्हणून.

रायू : (भिवन) कित्याक ? कितें जालें खंय ?

वासू : जातलें कितें ? आतां खंय ती सामकी बरी जाली. वगीच हॉस्पिटलाचो खर्च कित्याक ? घराकडें व्हर आनी वखदां मात नेमान दियत राव अशें सांगलां दोतोरान.

रायू : (सुस्कारो सोडून) हूं ऽऽ ! म्हळचार हें सपन सामकें अुरफाटें पडलें तर !

वासू : बरें रायूबाब, येतां हांव. बरें गे वैनी. मागीरसर येतां काकीबायची खबर घेवपाक.

वैनी : वासुदाद, हें कितें ? पायांक जोतीं घालीनासतना वतात ?

वासू : हें पळय अशें जातां. (जोतें घालून वता)

रायू : आनी ही भाजयेंची पोती आमकां दवरता ?

वासू दी--ती व्हरना जाल्यार ही दवरता म्हाका !

(सगळे हांसतात. वासू पोती घेवन भायर वता. सोंपता)

मिशयो रे मिशयो !

(आयजूच दिगूचें लग्न जालां. सरू माथ्यावयल्यान पदर घेवन दिगूची वाट पळयत बसलां. दिगू येता)

दिगू : येऽऽ! म्हाकां पळय... हांव आयलों... हांव.. हांव दिगंबर, तुजो घोव. आमचें लग्न जालें, दनपरां. अशें तोंड पदरांत धांपून कित्याक बसलां ? ये... म्हजे बायले... नांवूय विसल्लों पळय. किलें गो नांव म्हजे बायलेचें ?

सरू : सरल !

दिगू : आ हाऽऽहा ! कितलें सोबीत नांव ! सरल ! नांवावयल्यान तूं सरळ सभावाचें आसतलें, हातूंत दुबाव ना. पुण हांव तुका सरल म्हणचोना. म्हाका अर्दी नावां घेवपाक आवडटा. कांतू, शांतू, दिपू, अशा नांवानी अुलो केलो कि मनीस सामको आपलोसो दिसता. सामको आपलो. सरूऽऽ!

सरू : वोऽऽव !

दिगू : हांव तुकां सरू म्हणू ?

सरू : म्हण रे म्हज्या राजा.

दिगू : राजा ! वाऽऽ! तुवें म्हाका राजा म्हणलो आनी लग्न जाल्ल्याचें सार्थक जालें. हांव खरोंच राजा जालों. ह्या राज्याचो राजा. पुण सरू, म्हजे राणये, म्हजें सगळें राज्य अशें साडयेन गुटलावन, पदरांत धांपून कित्याक दवल्लां ? मात्सो तो पदर कुशीक काड. पळोवया तरी म्हजें राज्य कितलें सुंदर आसा तें.

सरू : तो तुमीच काडचो आसता. केन्ना सिनेमाबी पळयना दिसता !

दिगू : हांवें काडपाचो ? बरें आसा. हांवूच काडटां... पुण म्हाका भंय दिसता. हात थरथरतात. घामसो येता.

सरू : आवंय-आवंय ! कसलो गे बाये दादलो हो. भित्रो ! आता म्हाकाच फुडाकार घेवचो पडलो. घे. काडलो पदर.

दिगू : आवयस ! कितलें सुंदर दिसता गो तू ! पुनवेची चान्नी रात म्हजे कुडींत आनी चंद्रीम म्हज्या म्हऱ्यांत आसासो दिसता.

सरू : हें भाशण पाठ केल्लें दिसता. (आंगार पाल पडिल्लेवरी) आवंय-आवंय ! पयस राव, पयस राव. लागी येवनाका... शी, आंवंय ! बायजण शें !

दिगू : बायजण ? बायजण कित्याक तर ? तूं बायल म्हजी, वयल्यान म्हाका बायजण म्हणटा ?

सरू : बायजण न्हय जाल्यार कितें ? तुमचें तोंड पळयल्यार कोणूय बायजणूच म्हणटलो. हारशांत पळयलां तुमी तोंड ? पळयात मात्शें.

दिगू : पळय, पळय हारशांत. वायट दिसतां हांव ? कायबरो गोरोपिट्ट आसां. आतां भितर सरचे पयलीं केंस अुगयल्या. खाड-मिशयो तासून गुळगुळीत केलां. बायजणपणाचें कितें लक्षण आसा म्हज्यांत ?

सरू : शी ! गुळगुळीत केलां खंय ! तेंच नाका म्हाका. पयली कळिल्लें जाल्यार लग्नूच जावचें नासलें हांव तुमचेकडेन. गडबडीनूच केलें सगळें. तुमचें तोंड लेगीत पळोवंक दिलेंना म्हाका पापान. (रडूंक लागता) त्रासांत पडलेंगे बाये हांव. फाटीं सरात. म्हाका वीट येता असल्या मनशाची.

दिगू . पुण कित्याक वीट येता तुका म्हजी ? अशें तोंड वांकडें कित्याक करता ? आतांच वासाचो शाबू लावन न्हावन आयलां मगो हांव. त्याभायर अितलो चेर माल्ला.

सरू : तुमच्यो मिशयो खंय आसात ?

दिगू : मिशयो... मिशयो...

सरू : मिशयो-मिशयो कितें ? मिशयो नासतना म्हणून मनशाक दादलो म्हणू येता ?

दिगू : त्याखातीर तूं म्हाका बायजण म्हणटा ?

सरू : शी ! तुमचें तोंडूच पळोव नज म्हज्यान. अुजळ्ळेलेबशेन. आवयस ! आंग शिरशिरता सामकें. मिशयो नाशिल्ल्या खंयच्याच दादल्याकडें

हांव केन्ना अुलय पसून ना. आनी आयज... आयज मिशयो नाशिल्ल्या मनशाकडेंच म्हाका लग्न जावचें पडलें (रडटा)

दिगू : पुण–पुण सरू, म्हाका पयली पसुनूच मिशयो नात––

सरू : पयली पसुनूच नात ? (आनीक रडटा)

दिगू : तशें न्हय-तशें न्हय. मिशयो ना म्हणचें हावें केन्ना मिशयो दवल्ल्योना.

सरू : देवा, कसल्या दादल्याकडें म्हजी गांठ माल्ली रे तुवें ? ह्याका तुवें बायलेच्या जल्माक कित्याक घातलोना. निदान म्हज्या गळचांत तरी पडूंक पावचो नासलो.

दिगू : सरू... सरू... म्हाका मिशयो .. मिशयो––

सरू : दुसरें कितेंय नासलें जाल्यार कामा येतालें. मिशयो जायच आसल्यो रे देवा. (रडटा)

दिगू : रडू नाका सरू, रडू नाका. अशा शुभसमयार रडचें न्हय. म्हाका... म्हाका संवंय ना मिशयांची. आनी मिशयो दवरपाक म्हाका बंदी आसा.

सरू : बंदी आसा खंय... (व्हडान रडटा)

दिगू : हें पळय सरू. म्हजें आयक. हांव तुका समजायतां. मिशयो नासप हें मोठेपणाचें लक्षण. व्हड व्हड मनशांक मिशयो नासल्यो. तूं रामाक वळखता ?

सरू : बऽऽरें वळखतां रामाक. हांव सद्दां वतां तागेर. हांव बचना जाल्यार तो येता. ताका बऱ्यो अितल्यो दाट मिशयो आसात. अशो तोंडांत वतात.

दिगू : तोंडांत वतात ?... हां... तो तुमचो रामा न्हय. राम–भगवान श्रीराम. देव. ताका खंय मिशयो आसल्यो ? श्रीकृष्णाक खंय मिशयो आसल्यो ? ताणे केलोना सोळा हजार बायलांकडेन संवसार ? गौतम बुद्धाक मिशयो आसल्यो ? अितले पयस कित्याक, हालीच्याच काळांत पळय, नेहरूक आसल्यो ? कित्याक नासल्यो तांकां मिशयो ? कारण ते सगळे व्हड मनीस. व्हड मनशांक मिशयो आसनात. मिशयो आसतात दुश्ट मनशांक. जितलो दुश्ट चड, तितल्यो मिशयो व्हड. मनशाची दुश्टपणां मिशयांचेर पारखुचीं. रावणाक मिशयो आसल्यो मगो ? कितें गो ?

सरू : हय

दिगू : रावण बरो मनीस ?

सरू : हय. ताणे कायबरी सीतेक अुखलून व्हेली. सीता लेगीत ताज्या मिशयांक भुल्ली

दिगू : शी–शी !... बरें, तुवें नरकासूराक पळयला ?

सरू : हांव कशें पळयतलें नरकासूराक ?

दिगू : तशें न्हय गो. तुवें दिवाळेचे नरकासूर पळोवंकना ?

सरू : पळयल्यात

दिगू : कितले पळयल्यात ?

सरू : खूप पळयल्यात. म्हाका रामान भोंवडावन दाखयल्ले

दिगू : हय मगो ? तातूंत अेकतरी मिशयो नाशिल्लो नरकासूर आसलो ?

सरू : ना

दिगू : मिशयांबगर नरकासूर ना. लोक ताका वर्सान वर्स मारतात, पेट्टात, ल्हासतात, बडयतात. ताजी धींड काडटात. कित्याखातीर ?

सरू : तो बरो न्हय. कुस्को ! घाण येता ताका, नर्कांतली. रामाच्या मिशयांक बरो वास येता

दिगू : पुरो–पुरो ! नरकासूर बरो न्हय, कित्याक तर ताका मिशयो आसल्यो

सरू : पुण ताज्यो मिशयो बऱ्यो दिसताल्यो. म्हाका त्या रामाअसल्यो मिशयो जाय

दिगू : आवयम ! आतां म्हाका राग येतलो. सरू–सरू म्हाका मिशयो दवरूंक मेळना. हावें मिशयो दवल्ल्यार... कशें सांगू तुकां. म्हाका मिशयो सोबच्योनात सरू

सरू : नाका सोबूं. पुण म्हाका जाय मिशयो. तुमी दवरतात काय ना मिशयो ? आतांच सांगात. म्हाका हात लावचे पयलींच सांगात

दिगू : तुजो अितलो हट्ट आसा जाल्यार दवरून पळयतां

सरू : चलात तर. बेगीन दवरात. नाजाल्यार म्हज्या म्हऱ्यांत येव नाकात

दिगू : आगो पुण, आतांच कशो दवरूंक जातल्यो ?

सरू : कित्याक जायनात ?

दिगू : तशो हांव .. हां... व आतांच दवरतां गो. पुण त्यो आतांच वाढच्योनात. व्हडल्यो जावपाक खूप दीस लागतले

सरू : कितले दीस लागतले ?

दिगू : म्हयनोभर तरी लागतलो

सरू : (रडटा) अितले दीस लागतले ? फुकट केलें हावें तुजेकडेन लग्न.

अेक म्हयनो फुकट गेलो म्हजो

दिगू : सरू...

सरू : चलात. मिशयो वाढसर म्हजेकडेन अुलोव नाकात

दिगू : अशें किते करता सरू ? अितले दीस लागचेनात. बेगीन जातलें तें. पंदरा दिसांनी वाढटा तशें करतां हांव

सरू : तशें जाल्यार पंदरा दीस म्हाकां हें धवें तोंड दाखोव नाकात.

दिगू : अशें करू नाका सरू

सरू : नाका, म्हाका नाकात तुमी...

दिगू : पाड पडूं म्हजें ! कित्याक म्हणून हावें मिशयो दवल्ल्योनात ! सरू पळय. हांव तुजो सोपूत घेवन सांगतां, आयच्यान हांव मिशयो वाढयतांच. पुण आयज कितेंतरी उपाय सांग

सरू : उपाय अेकूच. मिशयो

दिगू : अेका खिणांत मिशयो खंयच्यो हाडूं ?

सरू : जाय थंयच्यान हाड. म्हाका मिशयो जायच

दिगू : आरेरे ! कसलें हें विचित्र संकट ! मिशयांक लागून असलो प्रसंग येत म्हूण हावें चितूंक नासलें. आतां खंयच्यो मिशयो हाडूं ?... आ... ! काम जालें. सरू, येतां. अेका मिनटान येतां. . (भितर वचून हालायत्यो मिशयो लावन येता) हा–हा... आयलों. सऽऽरू ! म्हाकां पळऽऽय ! (मोठ्यान हांसता) पळयल्यो कितल्यो दाट मिशयो म्हज्यो ?

सरू : आवयस ! कायबऱ्यो मिशयो ! आतां बरो दिसता तूं

दिगू : कसो दिसतां ? आनी अेकदां सांग

सरू : बरो दिसता. मिशयाळो (मिशयांक हात लावंक करता)

दिगू : राव–राव, हात लावं नाका

सरू : कित्याक ? म्हाका हात लावंक जाय. मिशयांक हात लावंक बरें दिसता म्हाका. त्या रामाच्यो मिशयो हांव––

दिगू : रामा, रामा, रामा ! रामाच्यो मिशयो अितल्यो बऱ्यो दिसताल्यो जाल्यार–– (मिशयो पडटात)

सरू : आंवंय ! मिशयो पडल्यो. अडेच्यो लावन आयला. म्हाका नाका असल्यो मिशयो. चल हांगासलो. (रडटा)

दिगू : सरू... सरू. हावें अुतर दिलें न्हय तुका. हांव वाढयतां मिशयो. आयज ह्या मिशयांनी भागोवया

सरू : त्यो रोकडचोच हातांत येतल्यो. म्हाका खऱ्यो मिशयो जाय. रामा असल्यो, मोठच्यो

दिगू : हायस् ! हायस् ! त्या रामान सगळी वाट लावन दवल्ल्या. हाताक मेळिल्लो जाल्यार चेटणी करतलों आसलों. सरू, म्हजें आयक

सरू : नाका, म्हाका कांयच सांगू नाकात. मिशयो आयल्याबगर म्हजेकडेन अुलोवं लेगीत नाकात. चलात, चलात पयली भायर. म्हजे कुडींत पावल दिव नाकात. (दिगूक धुकलून भायर घालता आनी आपुण रडूंक बसता)

(ऑफिसांतलो देखाव)

पयलो : आरे दिगंबरान सिरवीस सोडली खंय ?

दुसरो : कितें सांगता रे ? पुण तुका कोण सांग ?

पयलो : सांगूंक कित्याक जाय ? मिशयो वाढयल्यात ताजेर कळना ? काल पळयला हावें, बायलेक घेवन मिशयांर हात ओडीत पिक्चराक वतना. येदे मोठे विंचू कशे आसले ओंठार. (सगळे अजापतात)

चली : जायत ! आतां लग्न जाला न्हय तो ! घरचीं कामां कोण करतलो ?

पयलो : बायल कसली सिरवीस करता काय ताजी ?

दुसरो : मोडपाची. (सगळें हांसतात)

चली : आनी जोडपाची कोण करता तर ? हाणे नोकरी सोडली म्हण्टा मरे तूं ?

दुसरो : मिशयो आसात न्हय गो ? दिगंबराच्यो मिशयो त्यो. दिसाक अेक केंस विकल्यार पूरो. भल्लें पोट. (हांसतात)

चली : लग्न जाल्ल्याक तो ऑफीसाक येंवना खरो. बरीच व्हडली लीव काडल्या कितें रे ?

पयलो : अू . . ! तीन म्हयन्याची

दुसरो : मॅटरनिटी लीव ?

चली : न्हय. पॅटरनिटी (हांसो)

पयलो : तो ऽ ऽ पळय येता.

चली : खंय रे ?

पयलो : तो पळय. मार मॅनेजर जाल्लेबशेन बोल्सांत हात घालून चलता.

चली : आंवंय ! तो दिगंबर रे ? विचित्रूच दिसतान्हय ?

दुसरो : वळखूंक पसून येना मरे तो

पयलो : आमीं ताजी कॉमीक करया
चली : वळखनाशिल्लेबशेन करया
(दिगंबर येता. बऱ्योच दाट मिशयो वाढयल्यात)
पयलो : शू ! कोण जाय ? ये मनशा, तुकां सांगता
दिगू : म्हाका ?
पयलो : हय तुकांच. कोण जाय ?
दुसरो : मॅनेजर अजून येवंकना
चली : अकरा जातात थंय आसा
दिगू : कितें रे तुमी, म्हाका वळखनात ?
पयलो : कोण तू ? आमी वळखनात
चली : वगीच कोणूय भीतर सरता आनी वळखना काय विचारता
दुसरो : वा– चल भायर्
दिगू : आरे हांव दिगंबर. म्हाका वळखनात ?
चली : कोण दिगंबर ? दिगंबराक मिशयो खंय आसात ?
दिगू : मिशयो वाढयल्यात हावें
पयलो : मिशयो वाढयल्यो, आनी नोकरी सोडली ?
दिगू : ना. मिशयो घेवनूच सिरविसेक आयलां
चली : मिशयो घेवन ह्या ऑफीसांत तूं काम करतलो ?
दुसरो : तुवें घरचो रस्तो धल्ल्यार बरो
पयलो : ये-- मॅनेजर सायब येता. (मॅनेजर येता. ताकाय मिशयो आसात. सगळे ताका गुड मॉर्नींग करतात. मॅनेजर थोडो वेळ उबो रावून दिगूक रागान पळयता, आनी कॅबीनांत वता)
दुसरो : दिगंबराच्यो मिशयो पळयल्यो रे ताणे
पयलो : आतां आसा तुका भायरी
चली : कित्याक दवरूंक जाय आसल्यो मिशयो !
मॅनेजर : (मेजावयली बेल वाजयता. प्यून भितर वता) दिगंबराक आफयला सांग
प्यून : (भायर येवन) दिगंबर, तुका मॅनेजरान आफयला
(दिगंबर कॅबीनांत वता)
दिगू : गुड मॉर्नींग सर

मॅनेजर : आरे दिगंबर, हांगा यो रे. असो लागी यो रे. (ताज्या मिशयांक हात लायता)

दिगू : कितें सर ? म्हज्या मिशयांकसो हात लावन पळयता ?

मॅनेजर : अडेच्यो लायल्यात काय पळयतालों

दिगू : ना सर. म्हज्योच मिशयो त्यो. हावें वाढयल्यात

मॅनेजर : बरें केलेंना. साप बरें केलेंना

दिगू : कित्याक सर ? हावें कितें वायट केलां ?

मॅनेजर : खूप मोठो अन्याय केला

दिगू : अन्याय ? कोणाचेर ?

मॅनेजर : म्हजेर. तुजें नांव कितें रे ?

दिगू : दिगंबर– सर

मॅनेजर : दिगंबर ह्या अुतराचो अर्थ कितें रे ? खबर आसा तुका ?

दिगू : सर... तुमी जाणात सर ताजो अर्थ

मॅनेजर : हय. हांव जाणा. दिगंबर म्हणचें उगडो. आंगार वस्त्र नाशिल्लो. तरी आसतना तूं आंगार कपडे घालता. हावें तुका कितें म्हळां ?

दिगू : ना सर

मॅनेजर : पुण बोट दिल्यार तूं हात घेता मरे

दिगू : कितें सर ? हावें सदचे अितलेच कपडे घातल्यात

मॅनेजर : हांव कपडयांचें अुलयना. तें तुवे घातलेना तरी हांव विचारचो नासलों. जाणा जावन पिशें पांगुरता ? त्यो मिशयो तुवें कोणाक सांगून दवल्ल्यो रे ? तुज्या नांवाप्रमाण तुका मिशयो सोबतात रे ?

दिगू : सर, म्हजे सिरवीसेक आनी मिशयांक कसलें कनेक्शन...

मॅनेजर : कनेक्शन ? खूब व्हडलें कनेक्शन आसा. ह्या ऑफीसांत अेकटयाक तरी मिशयो आसात जाल्यार पळय

दिगू : तुमका आसात सर

मॅनेजर : हांव मॅनेजर. म्हाका मिशयो आसुकूच जाय. म्हज्यासारक्यो तुमीय मिशयो दवल्ल्यो जाल्यार तुमच्यांत आनी म्हज्यांत फरक कितें अुल्लो रे ? हांव मॅनेजर मरे ? आनी तूं क्लार्क मरे ?

दिगू : हय सर. यू. डी. सी.

मॅनेजर : मागीर हें कळप कशें रे ? म्हज्यापरस तुमच्यो मिशयो व्हडल्यो जाल्यो जाल्यार, म्हज्यापरस तुमी अूंच जाले. हांव क्लार्क आनी तूं

मॅनेजर जालो. लोक म्हणटले मरे अशें ? सांग रे

दिगू : हय सर

मॅनेजर : तूं इंटरव्यूक आयिल्लो तेन्ना तुका हावें पयलोच प्रस्न कितें विचाल्लेलो . अुगडास आसा ?

दिगू : याद जायना सर

मॅनेजर : तुका हावें विचारिल्लें, तू मिशयो कित्याक दवरीना काय म्हूण. विचारिल्लें मरे ?

दिगू : हय सर

मॅनेजर : तुवें कितें जाप दिली जाणा ?– म्हाका मिशयो दवरप आवडना. आता अकस्मात तुका मिशयो कशो आवडूंक लागल्यो रे ?

दिगू : सर म्हाका मनापसून मिशयो आवडनात. पुण...

मॅनेजर : पुण कितें तें हांव जाणा. तूं मॅनेजर जावंक सोदता. हें पळय, मिशयो दवरचोना अशें तुवें म्हाका प्रॉमीस दिल्लें म्हणून हावें तुका जॉब दिल्लो. तुवें दिल्लें उतर पाळ्ळेंना. प्रॉमीस मोडलें. आता आयक,– नोकरेपरस तुका जर तुज्यो मिशयो चड मोलाच्यो आसत, तर तूं जरूर मिशयो दवर. तुका अेक कितें ते सांबाळचें पडटलें, मिशयो ऑर जॉब. दोनूय सांबाळूंक मेळचेंना. आयज तूं ऑफीसांत रावू नाका. आनी फाल्यां त्यो मिशयो घेवन येव नाका. येना जाल्यार अुपकरता. समजलो ? चल

(लातां–आयदनांचो गडगड. दिगू हाताक मेळटा ती वस्त शेंवटून मारता. अेकसारको सरूक अुलो मारीत आसा)

दिगू : सरू... सरू... हांगा यो पयलीं

सरू : कितें जालां ? हें सगळें उडयलें कित्याक ?

दिगू : म्हजें खाडाचें मिशीन खंय गेलें ? आनी हांगासल्यो सगळयो ब्लेडी कशो ना जाल्यो ?

सरू : हांव जाणा ? हांव खाड काडटा ?

दिगू : थंयच– थंयच चुकलां सगळें. आमकांच खाडमिशयो. तुमकां कित्याक ना ? मिशयो आसल्यो जाल्यार कसले प्रॉब्लेम येता तें कळटलें आसलें तुका. पयली खाडाचें मिशीन घेवन यो

सरू : हावें दवल्लां तुमचें खाडाचें मिशीन ?

दिगू : ह्यवय. तुवेंच लिपोवन दवल्लां तें. आनीक कोण आसा घरांत ?

सरू : हांवशें कित्याक दवरतलें ?

दिगू : मिशयो काडीत म्हणून. सकाळचो हांव खाड काडटना, सगळीं कामां कुशीक दवरून, हारसो दाखोवपाच्या निमतान म्हज्यो मिशयो राखूंक रावता तें म्हाका कळना समजलां ?

सरू : सकाळींच खाड काडलां. आतां आनी खाडाचें मिशीन कितें करूंक तर तुमकां ?

दिगू : मिशयो काडूंक

सरू : कितें म्हळें ? मिशयो काडूंक ?

दिगू : ह्यवय. मिशयो काडूंक

सरू : म्हणचें मिशयो काडूंक सोदतात तुमी ? (रडटा) हाजो अर्थ, हांव तुमकां मात्त आवडना ? (रडटा) बायलेपरस तुमकां मिशयो व्हड ! फटवलें रे हांव. फटवलें. सादचो मिशयो लेगीत ह्या दादल्याच्यान म्हज्याखातीर राखूंक जाल्योनात. फुकट मेळटात म्हणून बऱ्यो. हावें कितें भांगरां मागूंकनासलीं. मिशयो मागिल्यो

दिगू : भांगरापरस म्हारग पडटल्यो ह्यो मिशयो म्हाका

सरू : सामकें नागवलें हांव. वगीच केलें हावें तुमचेकडेन लग्न

दिगू : सरू, सरू, कितें चलयलां तुवें ? मिशयांक आनी लग्नाक कसली सोयरीक ?

सरू : सोयरीक जुळयली तेन्ना पापाचेर पातयेवन रावलें थंयच फटवलें. पापाचेर विस्वासलें आनी सुळसुळीत सोरोपसो म्हज्या गळ्यांत पडलो. इतले दीस फाटीक लागून कायबऱ्यो रावणाबशेन मिशयो दवल्ल्यो जाल्यार आतां काडूंक सोदता. कसली पाडी बुद सुचली तुमका ही... मिशयो काडून मात पळयात तुमी....

दिगू : कितें करतलें ?

सरू : हांव घटस्फोट दितलें

दिगू : कितें, घटस्फोट ? सरू, तुका जालां कितें ? म्हज्या मिशयांक लागून घटस्फोट दिवपाक तयार जालें तू ? म्हज्यो मिशयो खंय, आनी घटस्फोट खंय !

सरू : मिशयो नाशिल्लो घोव म्हाका नाका. एका सोरपावांगडा संवसार करूंक म्हजेलागी जमचेंना

दिगू : तें तुवें आदी चिंतपाचें

सरू : तें हांव नकळ. हांव घटस्फोट दितलें म्हणचे दितलें. तूं मिशयो काडुनूच पळय

दिगू . घटस्फोट दितलें मगो तू ? दी. पयलीं म्हजें खाडाचें मिशीन दी

सरू : आंवय ! दी खंय घटस्फोट (रडटा)

दिगू : हयवय ! दी. दी. दी. मिशयांपरस म्हजें पोट व्हडलें
(दाराची बेल वाजता. सरू दार काडटा.)

सरू : पापा, तूं आयलो ? बरें जालें. पापा... पापा...

पापा : आगो अशें रडटा कित्याक ? आरे दिगू, हें चल्लां कितें ? लग्न जावन अजून चार म्हयने जावंना. लागली झगडूंक ?

सरू : पापा– म्हाका घेवन वच. म्हाका नाका हो घोव

पापा : आगो तुज्याखातीर ताणे येदचो व्हडल्यो मिशयो दवल्ल्यात आनी तू ताका सोडून वता ?

सरू : मिशयो काडटा खंय तो

पापा : दिगू, हें खरें ?

दिगू : हय. हांव मिशयो तासतां. आतांच तासतां

पापा : पुण कित्याक ? आडखळ जाता ? केंस नाकांत वचून शिंको येतात ? काय ओंठार जड लागतात ?

दिगू : खातना जेवतना तोंडांत वतात, च्या पितना च्यावेंत बुडटात, उलयतना पोल्यात कातकुतल्यो जातात

पापा : आरे मिशयो म्हळचार दादल्याचो पुरुषार्थ. त्यो काडल्यो जाल्यार तुज्यांत आनी बायलेंत फरक कितें उल्लो ? देवान दादल्यांकूच दिल्यात त्यो मिशयो. बायलांक दिवना. कित्याक ? कारण दादलो कर्तुपी, कश्टी. दादल्यान घाम गळसर कश्ट करूंक जाय. कपलावयलो घाम दोळ्यांत वचचो न्हय म्हूण भुंवयो दिल्यात त्याचप्रमाण तोंडांत वचचो न्हय म्हूण मिशयो दिल्यात. आसूंदी त्यो काडू नाका.

दिगू : पुण पापा, ह्यो मिशयो, ह्यो मिशयो न्हय. म्हज्या नाकाक मारिल्लो गुड्डो तो. म्हजे गोमटेर दवरिल्ली तलवार ती. मिशयांच्या रूपान हो काळ बसला म्हज्या ओंठार. ह्यो काडल्योना जाल्यार हांव उपाशी पडटलों. पापा, ह्या मिशयांनी म्हज्या पोटाचो प्रस्न घुस्पल्ला. त्यो काडल्याबगर म्हज्या प्रस्नाक सुटका मेळचीना.

पापा : कितें उलयता रे तूं ? पोट आनी मिशयो, हातभर पयस. पोट मिशयांनी कशें घुस्पूं येता ? मान मोडली तरी पोट मिशयांक लागूं शकता रे ?

दिगू : लागता पापा, म्हजें लागता

पापा : लावन दाखय पळोवया

दिगू : म्हजी सिरवीस म्हज्या मिशयांपोंदा चिड्डल्या

पापा : ती कशी ?

दिगू : मिशयो तासल्योना जाल्यार म्हजी सिरवीस वता

पापा : अशें कोण सांगता ?

दिगू : आमचो मॅनेजर

पापा : (हांसता)... समजलें... समजलें. तुजो मॅनेजर आनी मिशयो... सगळें समजलें

दिगू : हांसपाची गजाल न्हय ही. बोलसां भल्यार पसून सिरविसो मेळनात हांगा

पापा : मेळटली. ह्या मिशयांच्या मालवाजार तुका हाजेपरस बरी सिरवीस मेळटली. त्याचखातीर हांव हांगा आयलां. आरे मिशयांनी प्रस्न घुस्पलो जाल्यार मिशयोच काडून उडोवप शाणेपणाचें, काय घुस्पल्लो प्रस्न भायर काडून सुटावो करप शाणेपणाचें ? (दाराची बेल वाजता) हो पळय आयलो तुजो प्रस्न सोडोवपी सोडवणदार. हांव ताका घेवनूच आयलां. चल दार काड. तुजो बॉस आयला

दिगू : म्हजो बॉस ? म्हणचें तुमी बॉसाक घेवन हांगा आयल्यात ? मेलों ! आता म्हजी नोकरी गेलीच. हांव पळटां फाटल्या दारच्यान

पापा : नाका. हांव आसतना कसलीच भिरांत ना. तूं हांगाच राव. सरू, तूं दार काड

सरू : खऱ्यानीच पापा, हांचो बॉस आयला ? हांव काडटां तर दार

(दार काडटा)

पापा : येयात, मिस्टर शक्ती, आमी तुमचीच वाट पळयताले

शक्ती : जांव बाबा, हांव समजलों घरांत कोणूच ना काय म्हूण

सरू : आवयस ! पापा, कितल्यो व्हडल्यो मिशयो बॉसाच्यो. कायबऱ्यो दिसता न्हय ? पापा, हांव मात्सो हात लायतां रे

पापा : सरू, भुरगेपणां करू नाका. मि. शक्ती, ही म्हजी धूव, सरल

शक्ती : कितें मिस्टर वांयगणकार, हांव तुजे धुवेक वळखच नाशिल्ले वशेन करता

पापा : आनी हो म्हजो जावंय, दिगंबर

शक्ती : ओ... ! वॉट अ सॅट ऑफ मूश ! वा--वा. सुंदर ! मि. वांयगणकार, यू आर लकी. कितलो हॅन्डसम जांवय मेळ्ळो तुका. वा–वा, कितें मिशयो ! मि. वांयगणकार, ह्यो मिशयो न्हय, हीं मिशयांचीं झोपां. वेरी ग्लॅड टु मिट यू मिस्टर गदींबर

पापा : गदींबर न्हय– दिगंबर. दिगंबर म्हणचें–

दिगू : आसूं पापा, तें आनी सांगू नाका. दिगंबर म्हणचें दिगंबर. एका मनशाचें नांव

शक्ती : कितेंय सांग, मि. वांयगणकार, म्हजे कंपनींत अितले मिशयाळे मॅनेजर आसात. तांतल्या अेकल्याय मॅनेजराच्यो मिशयो ह्या मिशयांअितल्यो सुंदर नात

पापा : कशो आसतल्यो ? जांवय कोणाचो ?

सरू : पापा, मिशयो हावें दवरूंक लायल्यात. घोव कोणाचो ?

पापा : हयवय. मि. शक्ती ह्या मिशयांचें सगळें श्रेय सरूक वता

दिगू : मिशयो दवरपी हांव. मिशयो म्हज्या ओंठार आसात. मिशयो कोणाच्यो ?

पापा : हयवय ! अर्द श्रेय दिगबराक वता

शक्ती : मि. वांयगणकार, तुजो जांवय कसली सिरवीस करता ?

पापा : क्लार्काची

शक्ती : पिसो, पिसो

सरू : कितें म्हणलें ?

शक्ती : सामको पिसो

दिगू : कोण पिसो ?

शक्ती : तुजो बॉस. तूं जे कंपनीत काम करता, ते कंपनीचो मालक पिसो. अेक नंबरचो पिसो

दिगू : कितें ?

पापा : अशें कित्याक म्हणटात तुमी मि. शक्ती ?

सरू : आपल्या बॉसाक कितेंय वायट म्हणिल्लें हांकां खपना

शक्ती : आनी कितें म्हण ? अेका सुंदर मिशयाळ्या तरनाटयाक क्लार्काच्या पोस्टार दवरता ताका पिसो न्हय जाल्यार कितें मूर्ख म्हण ?

पापा : आनी कसलो पोस्ट दिवपाचो तर ताका ?

शक्ती : ह्या तरनाटयाक कंपनीचो डायरेक्टर करपाचो

पापा : पुण मि. शक्ती तो तुमचेच कंपनींत काम करता

शक्ती : म्हजे कंपनीत काम करता ?

दिगू : गुड मोर्नींग बॉस

शक्ती : अितलो तेंप ह्यो मिशयो म्हजे नदरेक कशो पडल्योनात ?

दिगू : बॉस, हावें हालीच वाढयल्यात

शक्ती : हीं येदीं व्हडलीं मिशयांचीं झोपां घेवन तूं म्हजे कंपनीत क्लार्काची नोकरी करता ? शी–शी ! हो म्हजे कंपनीचो अपमान. आनीं तुज्या मिशयांचोय अपमान. आनी वेळ करू नाका. आयज पासून तूं म्हजे कंपनीचो डायरेक्टर जालो

दिगू : हांव... डायरेक्टर ?... थँक्यू... थँक्यू बॉस. थँक्स अ लॉट

सरू : सर, थँक्यू वेरी मच

पापा : मि. शक्ती, तुजे उपकार कशे आटोवचे तें म्हाका समजना. सरू, चल लॅट्स सॅलेब्रेट. तुज्या हातची स्पेशल डीश आयज बॉसाक दाखय. मि. शक्ती चल, आमी भीतर बसूया

शक्ती : राव. हांव मात्सो ऑफीसांत वचून येतां. प्रमोशनाची ऑर्डर आतांच टायप करूंक लायतां. तोमेरेन तुमची तयारी जावंदी. मि. गदींबर– सॉरी गिदंबर– आय एम सॉरी, मिस्टर...

दिगू : दिगंबर सर

शक्ती : येस– मि. दिगंबर. काँग्रेच्युलेशन्स

दिगू : थँक्यू सर

शक्ती : मि. वांयगणकार, आमी वचून येंवया

पापा : चल या

(दोगूय वतात)

दिगू : सरू, म्हाका अेक चिमटो काड पळोवया. (चिमटो काडटा) हाऽऽय ! आसां–आसां. जागो आसां. सामकें सपनांत घडलेल्या बशेन घडलें. बॉस म्हज्या घरांत आयलो, म्हाका डायरेक्टर केलो आनी गेलो

सरू : येतलो परत. स्पेशल डीश खावपाक

दिगू : सरू, तुजी डीश लेगीत सपनाळे रूचीची जावंदी आं

सरू : तुजें हें सपन फळादीक करपी कोण सांग.

दिगू : म्हजो बॉस. बॉसाक मिशयो आवडल्यो म्हणून ताणे प्रमोशन दिलें. डबल, टीबल, चौबल प्रमोशन

सरू : हावें मिशयो दवरूंक लायल्यो म्हणून तुका प्रमोशन मेळ्ळें. तुजें सपन फळादीक करपी हांव.

दिगू : न्हय, हांव. हावें मिशयो दवल्ल्यो म्हणून प्रमोशन मेळ्ळें

सरू : न्हय. म्हजो पापा ! तो बॉसाक घेवन हांगा आयलो म्हणून तुका प्रमोशन मेळ्ळें

दिगू : त्या मॅनेजराक आतां दाखयतां. मिशयो बऱ्यो दिसता म्हणून म्हाका निखळावंक सोदतालो. मिशयो काडल्याबगर ऑफीसांत येवनाका खंय ! फाल्यां पळय, मिशयो अशो तायट करतां आनी टाक्... टाक् करून ऑफीसांत वतां आनी त्या मॅनेजराक म्हज्या कॅबीनांत आफोवन हाडटां– मिस्टर मॅनेजर, हांगा यो, असो लागीं यो. तुज्यो मिशयो म्हज्या मिशयांपरस लांब जाल्यो जाल्यार म्हज्यापरस तूं ऊंच जालो. हांव मॅनेजर आनी तूं डायरेक्टर जालो. लोक म्हणटले मरे अशें ? सांग रे

सरू : हय सर

दिगू : मोटव्यो कर. फाल्यां मोटव्यो कर. नोकरेपरस जर तुज्यो मिशयो चड मोलाच्यो आसत, तर तूं जरूर लांब दवर. तुका अेक कितें तें सांबाळचें पडटलें, आयदर मिशयो ऑर जॉब

सरू : ओके सर

दिगू : आयज तूं ऑफीसांत रावू नाका. आनी फाल्यां मिशयो मोटव्यो करून यो. चल. तुजी स्पेशल डीश बेगीन जावंदी

(दोगांय हांसतात)

सरू : आतां म्हाका तुमी खूप आवडटात. तुमच्या मिशयांमुखार त्या रामाच्यो मिशयो कांयच न्हय

दिगू : सरू–सरू त्या रामाचें नांव म्हज्यामुखार घेवनाका

सरू : (हांसता) पिकार जाता पळय कसो ! मिस्टर, रामा नांवाच्या मनशाक हांव वळख पसून ना.

दिगू : वळखना जाल्यार मिशयो कोणाच्यो ओडटालें. नरकासूर पळोवंक कोणाबरोबर भोंवतालें ?

सरू : तीं सगळीं फकणां. तुवें मिशयो दवरच्यो म्हूण हावें केल्लीं. रामाच्या रागान तूं मिशयो वाढयतलो म्हूण हांव जाणाच आसलें. आनी मिशयो वाढयतकच तुका प्रमोशन मेळटलें हेंय हांव जाणा आसलें

दिगू : कशें जाणा आसलें ?

सरू : लग्न जावचे पयलींच म्हाका पापान सांगिल्लें

दिगू : म्हणचें तुज्या पापान...

सरू : हय. म्हज्या पापान म्हाका हें नाटक करूंक सांगिल्लें. तुज्या प्रमोशना-खातीर. कारण तूं जें कंपनीत काम करता तें कंपनीत प्रमोशन मेळटलें जाल्यार मिशयो आसच्यो पडटात हें थोडयाच जाणांक खबर आसा. पापा तें सगळें जाणा, कारण मिस्टर शक्ती म्हज्या पापाचो फ्रेंड

दिगू : हांव मिशयो आनीक लांब करतलों खूप लांब करतलो

सरू : पुरो आं ! अितलेंच तें. आनीक प्रमोशन मेळपाचें ना

दिगू : थँक्यू सरू, थँक्यू. आयज म्हज्या मिशयांनी म्हाका वयर काडलो. आय लव मिशयो

सरू : हांव घटस्फोट दितलें

दिगू : सरू ?

सरू : मिशयो काडल्यो जाल्यार. (दोगांय हांसतात)

(अितलेंच)

तुका पका झिंदाबाद

दोतोर : बायल–मनीस
पका : गरीब. आंगान बारीक
तुका : गिरेस्त. आंगान मोटो

(मेजार दोतोराचें कांय सामांन. दोतोर अस्वस्तायेन पासयो मारता. दुखणेकारांची वाट पळयता. पका येता)

दोतोर : यो– यो. तुजीच वाट पळयताली हांव

पका : दोतोर, म्हजी वाट पळयताली ? अशें कशें जांव येता ? हावें तुका येता सांगलेलें तर ?

दोतोर : सांगूक कित्याक जाय ? पेशंट येवचे अशें आमका सदांच दिसता. आमची दोतोरकी तुमच्याच दुयेसांचेर चलता न्हय !

पका : अशें–अशें ! तूं म्हाका वळखना तर. हांव भिलों. आदींच म्हाका एक दुखणें. तांतूंत हें दुसरें लागलें काय समजलों

दोतोर : कसलें दुखणें ? सांग पळोवया ?

पका : म्हजें दुखणे तकलेचें. तूं तकलेची दोतोर, म्हण्टकूच हांव हांगाच आयलों. एक उपकार कर. कसलेंय वखद दिल्यार हांव घेवपी, पुण तकलेक इंजेक्शन मात करू नाका. ही अट मान्य आसा, जाल्यारूच हांव तुका गिरायक घालतां. नाजाल्यार दुसऱ्या दोतोराकडें वतां

दोतोर : अेकदम मान्य. तकलेक हात पसून लायना. हें म्हजें अुतर. आतां सांग. कितें जाता तुका ?

पका : दोतोर, म्हाका हांगाच कितेंशें जाता. (तकलेक)

दोतोर : कितेंशें जाता म्हणचें कितें जाता तें सांगूक जमत ?

पका : हें कपल पळय आसा, तें अितलें मेरेन सुटून वयर वता आनी परत येवन बसता. म्हणचें अशें – पळय. चलता – चलता गाडी खोण-कुलांत पडटकच कशें जाता ? तशें म्हजे तकलेंत जाता. दीसभर गाडी खोणकुलांतूच चल्लेले भाशेन जाता

दोतोर : अशें केन्नाशें जाता ?

पका : अेकदां सुरू जाल्यार दीसभर चालूच अुरता. दुडवांचो आवाज कानार पडलो कि अशेंच जाता म्हाका

दोतोर : दुडवांचो आवाज ?

पका : हय दोतोर .,, आनी तो दिसलो म्हण्टकच

दोतोर : तो कोण ?

पका : तो – तुकाराम

दोतोर : तुकाराम ?

पका : हय ? ताजेभाशेन दुसरो कोणूय दिसलो जाल्यारूय म्हजी तकली अुसळूंक लागता

दोतोर : अूं ! दुडू आनी तुकाराम ह्या दोन गजालींक लागून तुजी तकली अुसळटा तर ! ... तुकारामाकडे दुडू चड आसात ?

पका : कूसता

दोतोर : तुजेकडेन ना ?

पका : दोतोराक फारीक करपाक आठ – आणे ना

दोतोर : तुकारामान आपले दुडू तुका दिवचे अशें तुका दिसता ?

पका : अेकूच फावट दिसलेलें. तेंच भूजलें म्हाका

दोतोर : भूजलें ? कित्याक ?

पका : हावें ताजेकडेन दुडू मागले. अेक हजार रुपया. ताणे सट् करून दिले

थोतोर : बरें जालें

पका : हावें मोडून काबार केले

दोतोर : एकदम बरें केलें

पका : आतां तो मेळिल्ले खेपो दुडू मागता. हांव खंयचे दितलों ?

दोतोर : अजून मागता तो ?

पका : मागून मागून थकलो तो. आतां मागपाचेंय सोडलें ताणे

दोतोर : कटकट गेली

पका : केन्नाय दिसल्यार दोळे मोठे करून म्हाका पळयता. पुण हांव चडसो दिश्टीच पडना ताका

दोतोर : तशेंच करपाचें तें. आता तुका चिंता कसली तर ?

पका : ताका हांव रीण आसां, तो मागीना, म्हजेकडेन दिवपाक जायना, हेंच म्हाका परतून परतून येवजून येता, आनी तकली उसळटा

दोतोर : समजलें ! कोणाकतरी तूं रीण आसा ही चिंता तुज्या मनाक खाता

पका : पोखरता

दोतोर : तुजें नांव कितें ?

पका : म्हजें खरें नांव प्रकाश. घराकडें म्हाका पका म्हणटात. म्हजें बोल्स सदांच पोकें आसता देखून लोक म्हाका पोको म्हणटात

दोतोर : हांव तुका फस्कलास वखद दितां. एकाच दिसा भितर तूं इतलो बरो जातलो, कि लोक तुका दुसरें नांव दवरतले

पका : लोकांक हांव भिना. हांव भितां फकत त्या तुकारामाक. मात्शे बेगीन वखद सांग पळोवया

दोतोर : ह्या दुखण्याक एकूच वखद

पका : बेगीन सांग

दोतोर : आयच्यानूच सुरू करपाचें

पका : कितें तें ?

दोतोर : तुवें अशें समजूंक जाय, कि तुवें तुकारामाचे दुडू दिले. अशें चितूंक जाय कि तूं कोणाच्या रीणांत ना. खोशेन राव. दिसभर हांसत राव.

पका : मागीर हांव सारको जातलों ?

दोतोर : सामको बरो जातलो. आंगान पसून भरतलो

पका : इतलें बरें वखद ? आतांसानूच करतां

(हांसता आनी मोटो जालो काय पळयता)

दोतोर : गुड ! गुड ! असोच हांसत राव. आतां तूं बरो जालो. म्हजी फी दी पळोवया

पका : फी ? कसली ?

दोतोर : म्हजी दोतोरकीची फी

पका : कितली ?

दोतोर : पंचीस रूपये

पका : दिले समज. हांव कोणाच्या रीणांत ना. खोशेन रावतां. दिसभर हांसत रावतां
(हांसत वता. दाराकडेंच ताका चिंतेस्त तुकाराम मेळटा. पका ताका मुद्दाम हटकिता आनी मोठयान हांसता. तुकाराम रडूंक लागता)

दोतोर : आरे बाबा, तूं रडटा कित्याक ?

तुका : तो हांसता. (रडटा)

दोतोर : ताका हांसू थंय ! तूं कित्याक रडटा ?

तुका : तो हांसता म्हणून हांव रडटां

दोतोर : तुजें दुखणे कसलें ?

तुका : हेंच. रडूंक येता. (रडटा)

दोतोर : आनी कितें जाता ?

तुका : न्हीद पडना

दोतोर : रातची काय दिसाची ?

तुका : केन्नाच पडना

दोतोर : न्हिदेचीं पिल्लां घेवन पळयलीं ?

तुका : एके फाक्टीन वीस पिल्लां घेवन पळयलीं

दोतोर : वीस न्हिदेचीं पिल्लां घेतलीं तुवें ? मेलोना ?

तुका : दोळे पसून जड जालेना

दोतोर : .. .अूं ! रडूंक येता, न्हीद पडना, आनी कितें जाता ?

तुका : दोळे मोठे जातात

दोतोर : राग येता ?

तुका : सोसूंक जायना इतलो राग येता

दोतोर : दोळे कितलेशे मोठे जातात ?

तुका : (दोळे मोठे करता) इतले. गोमटेक घांस मारीन दिसता. (दोतोर भियेता) भिव नाका. कांय करीना हांव. म्हणूनच तर म्हजें दुखणें वाडत वता. ताका धरून मारूंक जाल्लें जाल्यार हांव निवळटलों आसलों

दोतोर : हें तुजें रडप केन्नासान सुरू जालें ?

तुका : आतांच. हांगा पावलों तेन्नाच. तो हांसता तें पळोवन म्हाका रडूंक आयलें. म्हाका तो असो केन्नाच हांसनासलो. आयज म्हज्या तोंडाक पळोवन मुद्दाम हांसलो

दोतोर : तोच हांसलो म्हणून तुका रडूंक आयलें ? काय हांव हांसल्यारूय तूं रडटलो आसलो ?

तुका : तुजें कोणाक पडलां ?

दोतोर : तोच हांसल्यार तुका रडूंक कित्याक येता ?

तुका : कारण तो पका–पोको तो पोको. तो म्हाका एक हजार रुपया रीण आसा. मागून मागून तोंडाची चाळण जाली म्हज्या. हाली हावें मागपाचेंच सोडलेलें. तो म्हाका पळोवन तोंड घुंवडायतालो. आयज तो म्हाका पळोवन हांसलो. म्हणून हांव रडलों. (रडटा)

दोतोर : तुजें नांव तुकाराम ?

तुका : हय. तुका कशें कळ्ळें ?

दोतोर : तुजेकडेन दुडू कूसता खंय ?

तुका : कुसलो म्हूण ? ताज्या माथ्यार थाप म्हणटा ? त्या पोक्याक कितें करचें तेंच म्हाका समजना. तो दुडू दिना जाल्यार म्हजें दुखणें देंवचेंना. आनी तो असोच हांसूंक लागलो जाल्यार म्हजी रड थारचीना.

दोतोर : तुज्या ह्या दुखण्याक म्हजेकडेन वखद आसा

तुका : दी

दोतोर : तूं जेवणा–खाणाक दिसाक कितले रुपया मोडटा ?

तुका : हांव ? पन्नाशेक रुपया मोडटां

दोतोर : तुवें वीस दीस कडक अुपास करचो पडटलो. खायना जेयनासतना अुपाशीं रावचो पडटलो

तुका : वीस दीस ? कांयच खावप ना ?

दोतोर : अुदक पिल्यार जाता. कोणेय फुकट कितेंय हाडून दिलें जाल्यार खावं येता

तुका : सुकून सुकून मेलों जाल्यार ? अुपासूच कित्याक करूंक जाय ? दुसरो बरोसो अुपाय ना ?

दोतोर : हो सगळ्चान बरो अुपाय. पोक्याकडे मागीनासतना तुका दुडू मेळटले

तुका : कशे ?

दोतोर : तुका दिसाक जेवणाखाणाक पन्नास रुपया खर्च जाता. म्हणचें दोन दिसांक शंबर रुपया जाले ?

तुका : जाले

दोतोर : धा दिसांक पांचशें रुपया जाले ?

तुका : जाले

दोतोर : वीस दिसांक अेक हजार रुपया जाले. दिसाक पन्नास रुपया जर तुवें वाटायले जाल्यार वीस दिसांभितर अेक हजार रुपया तुजे तुका मेळ्ळे

तुका : अुपाशी रावप म्हज्यान कशेंच जमचेंना. दुसरो कसलोय अुपाय सांग

दोतोर : दुसरो अुपाय– तुवें कल्पना करप, कि वाटेर तुका पका मेळ्ळो आनी तुजें रीण ताणे फारीक केलें. म्हणून तो खोशेन हांसता. अशें तूं समज, आनी तूंय खोशेन हांस. ताज्यापरस तूं चड हांस. रोकडो बरो जातलो.

तुका : ताका पळोवन हांव हासूं ?

दोतोर : हय. ताका पळोवन चड हांस. आतांच कर पळोवया. (आपुण पका जाता) पका आयलो, तुज्या हातांत नोटींचें बंडल दिलें. अेका हजाराचें. (ल्हानशें पुस्तक ताज्या हातांत दवरता. तुका हांसता) तुजें रीण पावलें. तूं खोशी (तुका आनीक हांसता)

तुका : म्हजे पयशे खावंक सोदतालो ? आतां कशे भायर सल्ले ? आर्रर तूं ! (हांसता)

पका : (येता) ये तुकाराम, हांवें तुजें रीण फारीक केलें. (हांसता)

तुका : हय पोक्या, तुवें म्हजें रीण पावयलें. (हांसता) हांव खोशी, तूं खोशी

पका : आमी दोगूय खोशी. (दोगूय व्हडाव्हडान हांसतात. खांदार हात घालतात आनी हांसत वतात)

दोतोर : आरे म्हजी फी दियात... म्हजे पयशे दियात... (मात्शें चिंतता आनी आपुणूय हांसूंक लागता)

–– सोंपता ––

भरत नायक

हांचीं हेर पुस्तकां

तिसरे माळयेर बस ! (तीन नाटकुलीं)

चपलाहार (दोन एकांकी)

बॉबी न्हिदता तेन्ना.... (दोन एकांकी)

भेरें-भेरें टुणटुणें (दोन एकांकी)

मना-मना (मनकवनां)

भरत नायक

* अुत्तम नट, कुशल दिग्दर्शक, निपूण अेकांकीकार आनी सृजनशील साहित्यीक म्हूण नामनां जोडल्यांत.
* गोंयभर सत्तरांवयर प्रयोग जाल्ल्या "छप्पन्न थिगळी येसवंत" हंचा अेकपात्रींत ते गुणी आनी निजाचे नट म्हणपाचें सिद्ध जाता.
* गोंय कला - अकादमीन कितलेच फावट अभिनयाचीं आनी दिग्दर्शनाचीं अिनामां दिवन तांच्या नाटचकलेचो भोवमान केला.
* ताणी बरयल्ल्या अेकांकीचे प्रयोग गांवागावांनी लोक करीत आसात.
* आकाशवाणीच्या कार्यावळीखातीर बरप करता.
* "चपलाहार" अेकांकी संग्रहाक गोंय कला - अकादमी साहित्य पुरस्कार फावो जाला.
* "तिसरे माळयेर बस" अेकांकी संग्रहाक कोंकणी भाशा मंडळाचो साहित्य पुरस्कार फावो जाला.
* मना - मना हचा मनकवनांच्या पुस्तकांत ते मनाचो थाव घेतात.
* कथा, कविता, बालगितां आनी भुरग्यां - काणयो नेमान बरयतात.